कॅन्सर

दिलीप बोरकार

416
D7-DEV
DIL

774
Acc.No:

लेखकाचीं प्रसिद्ध जाल्लीं पुस्तकां

- वर्गशत्रू (नाटक)
- भरते-भार (नाटक)
  कला अकादमी पुरस्कार
- आण्टीची गादी (नाटक)
- दर्यासुंदरी (बालगितिका)
- आयज आमचें राज आयलें (रस्तानाट्य)
- गोमांचल ते हिमाचल (भोंवडेखबर)
  कला अकादमी पुरस्कार
- कॅन्सर (एकांकी संग्रह)

कव्हर चित्रां : डॉ. सुबोध केरकार
अक्षर संकल्पना : श्री. गोविंद नायक
कव्हर छापणावळ : काझा पॅकमास्टर, पणजी.

Konkani
Konkani in Devanagary Script
Ad- Drama.
000416
L:B01 - R04 (Dev.Ad)

दिलीप बोरकार

- कॅन्सर
- चार खांब्याकडेन
- धारेपेल्यान वच्चें आसा
- सवाय भितर सर्गार
- जैत

कॅन्सर

एकांकी संग्रह

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
774

अगस्ती प्रकाशन

CANCER
(ONE ACT PLAY
COLLECTION)

© दिलीप बोरकार

○ अगस्ती प्रकाशन क्र. ५

○ पयली उजवाडावणी
८ मे १९८९

○ प्रकाशक :
दिलीप बोरकार

○ प्रकाशन सहाय्य :
ॲड. सतिश सोनक
डॉ. सुबोध केरकार
श्री. दिनेश जोशी
प्रा. विश्राम गुप्ते

○ मुखचित्र :
डॉ. सुबोध केरकार

○ छापपी :
एस. जे. हुंद्रे
रवि मुद्रणालय
कडोलकर गल्ली, बेळगांव
फोन : २३०७९

[redacted]

अधिकृत किमत ३० रुपये

H16
Dr: Dev
DTL

A, DIL N89

चत्राय

ह्या एकांकीकांचे प्रयोग, अणकार, रूपांतर आदींचे सगळे हक बरोवप्याच्या सुवादीन आशिल्ल्यान ते खातीर तांची लिखित मान्यताय घेवप गरजेचें.

पड्डो उकतो करचे पयलीं...

नाटक वा एकांकी सादर करचे पयलीं माची आनी प्रेक्षक हांचेमदीं आडखळ हाडपी पड्डो आसता. हो पड्डो वयर सल्ल्या उपरांतूच प्रेक्षक आनी पात्रां हांचें नातें जुळत वता. हो एकांकी संग्रह आनी वाचक हांचेमदीं काळाचो एक पड्डो उल्लो. हो एकांकी संग्रह लिखाणाच्या नदरेन तसो पोरणो. हो १९८२ वर्सा प्रसिद्ध जावपाचो. पुण जाच्या हातांत पड्ड्याची दोरी दिल्ली ताणें तेच दोरयेचो फास करून म्हज्या गळ्याक घालो. ज्या छापखान्यांत ह्या संग्रहाचें छापप चलतालें, तो खंय पावलो ताकाच खबर. एकांकीका छापून तयार जाल्ल्यो. फक्त न्हेसण न्हेसोवपाचें उरिल्लें. पुण मदींच छापखानो बंद जालो. आनी तातूंत म्हज्यो एकांकीका आनी हातबरपय ना जालें. अजून तें म्हज्या हातांत पडूंक ना.

हांगा थंय पडिल्लें हातबरप सोदून काडटां, ताची प्रेसकॉपी करतां म्हणसर हो इतलो कळाव जालो. कांय नज. हो 'कॅन्सर' लोकांमुखार येवपाचोच आशिल्लो. आतां येता.

हातुंतल्यो कांय एकांकीका आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान आनी माचयेर हाडपाचें काम म्हज्या इश्टांनी केलां. सुभाष खांडोळकार, शिरिष लवंदे, माया घार्से, अंजू भोबे, नूतन राव ह्या म्हज्या कलाकारांचे हांव उपकार आठयतां.

आगशी–गोंय. दिलीप बोरकार.

○ लेखक

○ तरनाटो.

कॅन्सर

एका लेखकाची कूड. लेखक ओल्तेरार बसून सिगरेट ओडीत विचारांत दंग आसा. एक तरनाटो भायल्यान येता आनी दारार मारता.

लेखक : (बशिल्ल्या कडल्यान) कोण ?

तरनाटो : हांव तो !

लेखक : कोणाक सोदता ?

तरनाटो : अरुणकुमार आसात ?

लेखक : भितर यो. दार उक्तेंच आसा.

तरनाटो : (भितर येत.) अरुणकुमार ना ? हांव तांकां मेळूंक सोदतां.

लेखक : कितें काम आशिल्लें ?

तरनाटो : म्हाका अरुणकुमार हांकां मेळूंक जाय.

लेखक : तें समजलें. पूण कितें काम आशिल्लें ?

तरनाटो : तें म्हाका तांकांच सांगूंक जाय. ना ते घरांत ?

लेखक : हांवच अरुणकुमार.

तरनाटो : माफ करात आं ! तुमी अरुणकुमार !

लेखक : दुबाव सो दिसलो !

तरनाटो : तशें न्हय. पूण...

लेखक : पूण कितें ! हांव अरुणकुमार जावंक शकना ?

तरनाटो : तशें म्हणना. म्हजो समज आशिल्लो अरुणकुमार हे मात्शे जाण्टे आसतले.

लेखक : जाण्टो म्हळ्यार कसो ? पिरायेन काय विचारांनी ?

तरनाटो : पिरायेन म्हणपाचें आशिल्लें म्हाका. विचारांनी तुमी जाण्टे आसात हातूंत दुबावूच ना. तुमच्या बरोवपावेल्यानूच समजून येता तें. तुमचें बरोवप वाचूनच हांवें समज केल्लो

तसो पावसाळे काडलेबगर अशें अणभवी बरोवंक येत अशें म्हाका दिसूक नाशिल्लें.

लेखक : अणभव येवंक माथ्यावेल्यान पावसाळे वचपाची गरज ना. चड पावसाळे काडिल्ल्यांपरस दोळेकान उक्ते दवरून समाजांत वावुरपी भुरग्यांलागीं चड अणभव, अक्कल आसता.

तरनाटो : सारकें उलयले. खरें म्हळ्यार हांवें पयलींच वळखूंक जाय आशिल्लें तुमकां !

लेखक : कित्यावेल्यान ?

तरनाटो : ह्या तुमच्या भेसावेल्यान...

लेखक : सगळे लेखक म्हजेसारकेच भेस करतात असो तुमचो समज आसा तो चुकीचो.

तरनाटो : म्हाका तशें म्हणपाचें ना. पूण लेखकांविशीं हांवें आयकलां, वाचलां. ते लांबलांब धोपरामेरेन सदरे घालतात. खाडां वाडयतात, पिशांभशेन भोंवतात. सादे रावतात, सिगरेटी ओडटात...

लेखक : अच्छा ! ताजेवेल्यान म्हणटात तर ! पूण हो लोकांचो निव्वळ भ्रम आसा. लोकांनी लेखक-कवीच्यो वकच्छायो करपाखातीर केल्ली ही एक कल्पना. हातूंत तुमचो कांय दोश ना. तशें पळोवंक गेल्यार जण एकलो आपले कल्पनेप्रमाण दुसऱ्याचें रूप चितारीत आसता. आपले दोळे बंद दवरून, दुसरो कसो आनी कितें म्हणपाचें तो आपले मनां भितरूच थारायता. पूण खरें पळोवंक गेल्यार ताच्या कल्पनेंतलो मनीस तसो नासताच... हां... नांव कितें म्हण्टाले तुमी ?

तरनाटो : म्हजें नांव शिरिष. तुमी अशे येवजणेंत शे दिसतात ! तेंय बरोबर म्हणात, तुमी लेखक. तुमकां सतत विचार हो करचोच पडटा.

लेखक : आनी बाकीचे लोक विचार करीच नासतात. ते करतात फकत अविचार...

तरनाटो : तुमीं उतरांचो खेळ मात बरे

WORLD KONKANI LIBRARY

लेखकूच न्हय ! हांव पळय कसो योग्य मनशाकडे पावलों. म्हजें तुमचेकडे एक काम आशिल्लें.

लेखक : तुमी काम बी खंय करतात ?

तरनाटो : हांव बेकार ग्रज्युएट. हालीं वशिलो आसले बगर नोकरी खंय मेळटा ? पयरूच म्हज्या एका ओळखिच्यान प्यून म्हण रावपाक पांच हजार रूपया दिले. म्हजेकडेन वशिलोय लावंक जायनां आनी हजारूय मोडपाची तांक ना. म्हणून असो हो बेकार उल्लों.

लेखक : तशें जाल्यार म्हाका दिसना तुमचें काम म्हजेकडे जायतशें !

तरनाटो : ते खातीर तुमी कांयच चिंता करूं नाकात. हांव बेकार जरी आसलों तरी तुमकां जें कितें दिवपाचें आसा तें हांव दितलोंच. चड न्हय थंय थोडें तरी दिवपाची हांव वेवस्ता करतलोंच. पूण तुमी म्हजें...

लेखक : तुमीं म्हाका लांच दिवंक सोदतात तर ! पूण फुकट लेगीत करपाचें थारायल्यार तुमचें काम म्हजे लागच्यान जावंचेंना. हांव तुमीं समजतात तितलो व्हड मनीस न्हय. हांव एक सादो– दळभद्री लेखक. म्हजें कोण आयकता ? तुमकां नोकरेखातीर वशिलो लावंक जाय आसत जाल्यार तुमी चुकीच्या मनशालागीं आयल्यात. मंत्र्यांकडे ना तर तांच्या सोयऱ्यांकडे वचात. म्हजी आनी तांची वळख व्हडलीशी ना. केन्नातरी कसलेंय बक्षिस दितनां म्हजेर उलयल्यात बी आसत. पूण उपरांत म्हजें नांव लेगीत याद जाता काय म्हण दुबाव आसा.

तरनाटो : तुमीं चुकीची समजूत करून घेतल्या. हांव वशिल्याखातीर येवंक ना.

लेखक : मागीर म्हजेकडे आनी तुमचें कसलें काम आसा ? तुमचे-सारको तरनाटो भुरगो म्हजेसरी पयलेच पावट येता. तुमीं कितें कविता बी करतात ?

तरनाटो : ना. पूण तुमीं जें कितें बरयतात, तें हांव नेमान वाचतां.

लेखक : म्हजो एक वाचक तर तुमीं ! जावं, अशे तुमचेसारके कोणूय मेळ्ळे कि जिवाक खोस भोगता.

तरनाटो : तुमीं खरेंच बरें बरयतात. तुमची एकेक फिलॉसॉफी, एकेक विचार वाचून, कितेंय बरें वाचिल्ल्याचें समाधान भोगता.

लेखक : थँक्स फार दी कंम्पलीमेंटस्...

तरनाटो : तुमच्यो प्रेमकथा तर सामक्यो काळजाक पीळ घालपी आसतात. खऱ्यानींच, अणभव नासतना अशें बरोवप शक्यूच नासता. पयरूच तुमची एक कादंबरी वाचली. ढळढळीत रडलों हांव. तुमचो प्रेमभंग बी जाला ?

लेखक : प्रेमकथा बरोवंक प्रेमभंगूच जावंक जाय अशें काय नां.

तरनाटो : तरीय पूण तुमीं जे तरेन बरयलां, तें पळोवंक गेल्यार दिसता कि तुमकां खंयतरी खोल जखम जाल्या. रागार जावंनाकात आं, तुमची खाजगी गजाल विचाल्ली म्हण !

लेखक : कांयच हरकत ना. म्हज्या घराक हांवें केन्ना वण्टीच घाल्यो ना. म्हजें सगळें उगडचार आनी प्रेमाच्या बाबतींत सांगपाचें म्हळचार म्हाका केन्ना कोणांचेर प्रेम करप जमलेंच ना.

तरनाटो : मागीर तुमीं अशो कथा कश्यो बरयतात तर !

लेखक : गुरवारपणाच्यो वेणी समजुपाक गुरवार जावंकच जाय अशें ना. म्हाका दुसऱ्याचो मोग भावता. प्रेम म्हळचार एक सत्य. युनिव्हर्सल थ्रुत. तुमीं आपलें काम सांगलेंना !

तरनाटो : तुमी एक कथा बरोवंची अशें म्हाका दिसता. ते खातीर हांव तुमचेकडे आयिल्लों.

लेखक : लेखक म्हळचार एक कारखानो समजतात काय कितें तुमीं लोक ! दुसऱ्यांनी सांगलें म्हुण आमीं बरयनांत. म्हाका सुचलें जाल्यारूच हांव बरयतां.

तरनाटो : पूण म्हजेकडे एक कथेचें बीं आसा. ही थीम तुमी घेवन ताचेर एक सुरबूस कथा बरोवंची, लोकांनी उपरांत ती वाचची अशें म्हाका दिसता.

लेखक : हांव दुसऱ्यांकडल्यान थीम केन्नाच घेनां. म्हज्या दोळयांनी

हांव ती सोदतां. म्हजें अशें एक स्वतंत्र अस्तीत्व आसा. तुमीं चुकीच्या मनशाकडे आयल्यात. लोकांक जाय तें दिवंक हांव पसरकार न्हय.

तरनाटो :– हांव चुकीच्या मनशाकडे येवंक ना. म्हाका खात्री आसा, तुमीं ती बरयतले आनी दर्जेदार बरयतले.

लेखक : हांवे सांगलें न्हय ! हांव दुसऱ्याची कॉमेंट्री आयकून बरयना. ह्या विशयाचेर म्हाका आनीक उलवपाचें ना.

तरनाटो : नाका, नाका अरुणबाब. तुमीं ती बरयातूच. हांव सांगतां तुमकां ती कथा. तुमीं तातूंत तुमचीं उतरां घालून ती वाडयात. सामकी ट्रेजडी जावंदी.

लेखक : असल्यांनी तुमीं लेखकाची ट्रेजडी करून उडयतात. तुमकां जर इतली उमळशीक आसा जाल्यार तुमीच कित्याक ती बरयनांत ? येता तशी बरयात.

तरनाटो : म्हाका जमपाचें ना. आनी बरयलीय जाल्यार कोण छापचोंना. तुमच्या नावांकूच लागून दर एकलो ती वाचतलो.

लेखक : हांव म्हज्या तत्वाच्या आड वचूंक शकनां. तुमी जरी कितलीय विनवणी केली तरी म्हाका बरयन अशें दिसचेंना.

तरनाटो : तुमकां ती बरोवंची अशी दिसतलीच. हांव सांगतां न्हय तुमकां ! बरयल्या बगर तुमच्यांनी रावक जावंचेंनां. ती आयकून जर तुमी तशीच काळजांत दवल्ली जाल्यार तुमी घुसमट्टले. काळीज फुटूंक पावतलें तुमचें.

लेखक : अशी कथा जरी आसली तरी तिचो परिणाम म्हजेर कांयच जावंचोंना. कथेंतल्या सुख–दुखांचो लेखकाचेर कसलोच असर पडना.

तरनाटो : तुमीं कथा आयकल्या उपरांतूच तुमचें मत दियात. सांगतां हांव ती.

लेखक : तुज्या समाधानांखातीर सांग तूं. तुजें मन हलकें जायंदी.

पूण ती हांव बरयतलों म्हणपाची खात्री हांव तुका दिना.

तरनाटो : आयकात. सांगता हांव. एक तरनाटो गायक असता. एकदां गायतनां ताजी वळख एके चलयेकडेन जाता. खरें म्हळयार ताजें गीत आयकून ती चलीच ताजी वळख करता. ताका ताजें तें गीत आनी आवाज खुपूच आवडटा. तें ताच्या प्रेमांत पडटा. तेंय बी एक गावपी आसता.

लेखक : म्हणजे दोगांय गावपी तर! तुमीं फिल्म स्टोरी बी सांगून म्हजो वेळ होगडायनांत मूं?

तरनाटो : हो सिनेमांतली काणो न्हंय. तेंय एका कार्यक्रमांत गाणें म्हणटा. हाकाय तें आवडटा. दोगांय मागीर सांगाताक पदां म्हणटात. दोगांयनी सांगाताक गायिल्लीं गितां लोकांक आवडटात.

लेखक : मागीर दोगांय एकमेकाच्या प्रेमांत पडटात.

तरनाटो : हाकाच लेखकाची किमया म्हणटात.

लेखक : हातूंत कसलीच किमया ना. हें एक पिसो मनीसलेगीत सांगतलो. हें घडप नातुराल. मुखार...

तरनाटो : दोगांयचीय सपनां एक जातात. काळजाची धडधड एक जाता. दोगांय एकमेकापसून पयस रावंक शकनांत. अशेतरेन पांच-स वर्सां कशीं गलीं तीं कळच नांत.

लेखक : मागीर एक दीस दोगांय लग्न जातात.

तरनाटो : ना. लग्न जायनांत.

लेखक : आवय-बापायची आडखळ येता आसतली. हें अशेंच घडटा. दोन प्रेमी जिवांक तींच वेगळायतात. ही परंपरेन घडपी घडणूक.

तरनाटो : ना. हांगा आवय-बापायचीय आडखळ नाशिल्ली. तींच वेगळीं जातात एकमेकापासून. तें चली ताका सोडटा. आपलो तुजेर प्रेम ना अशें म्हणून वता.

लेखक : अशक्य. पांच-स वर्सां एकमेकावांगडा भोवून, एक-मेकाचेर प्रेम करून, एकमेकाक वळखून, उपरांत प्रेम ना

म्हणपी मनीसूच ना. चली तर केन्नाच म्हणची नां. चलयेचें काळीज फातर जावंक शकचेना.

तरनाटो : अशें लोकांक दिसता. पूण अशें घडलां. हांवें पळयलां. ताकाय कारण आसा. त्या चल्याक, गळ्याक कॅन्सर जाता.

लेखक : (थरथरत) ना. अशें घडचेंनां. ताका कॅन्सर जावंचोनां.

तरनाटो : लेखकाचे नदरेन जावंचोंना. जाल्यारूय बरो जातलो. पूण हांगा, दुसऱ्याचीं काळजां आपल्या आवाजान जिखपी, रसाळ आवाजाच्या त्या गावप्याक कॅन्सर जाता. ताजो आवाज सोंपता. तेचखातीर तें ताका सोडून वता.

लेखक : तूं बंडलां मारता. हांवें सांगलां तुका पयलींच ही अशक्य गजाल म्हण. धरून चलुया ताका कॅन्सर जालो. तरीय ताजेर प्रेम करपी चली ताका सोडूंक शकच ना. प्रेमाच्या आड कोणूच येवंक शकनां. कॅन्सर लेगीत !

तरनाटो : हांव कसो पटोवन दिवं तुमकां ? कशें प्रोवार करूं ? हें सुर्या इतलें सत्य तुमीं न्हयकारूंक शकनांत.

लेखक : पूण हांव न्हंयकारतां. हें सगळें कथा—कादंबऱ्यानी घडटा. वाचप्यांचीं काळजां हालोवपाखातीर. जिवितांत अशें घडना. खंयचीय प्रेयसी, इतल्या तेंपान आपल्या प्रियकराक सोडूंक शकनां, मोगाक केन्नाच कॅन्सर जायनां.

तरनाटो : म्हणजे, तुमीं कथा—कादंबऱ्यांनी वर्णन करतात तें सगळें फट तरी ! तुमीं वाचप्यांक फटयतात. अणभव घेनांआसतनां बरयतात.

लेखक : वीख घेतल्यार मनीस मरता हें खबर आसुनय विखाचो अणभव घेवन बरोंवचें अशें तुमचें म्हणणें ! लेखक मरतकच कोणें बरोवपाचे हे अणभव ?

तरनाटो : अणभव घेना आसतना कल्पना रंगोवन जर तुमीं बरयतात, जाल्यार विखूच घेवपाचें तुमीं.

लेखक : आमीं थोडें सत्य घेवन, उपरांत ताका कल्पनेचो रंग भरून निर्मिती करतात. तातूंत सगळेंच फट आसता अशांतलो

भाग न्हय.

तरनाटो : थोडें सत्य घेवन ताका तुमीं कल्पनेचो लेप दिवंक शकतात. पूण हें येदें व्हड सत्य मानून घेवंक तयार नांत!

लेखक : हांव मानतां. पूण लोक मानून घेवं नाकात? लोकांक पुराय सत्य मानवनां. ताणें पळोवंक ना हें सत्य.

तरनाटो : लोक म्हळचार कोण? हांव न्हय लोक? तुमीं पडनांत लोकांत?

लेखक : सारकें. पूण तुमीं खंय अणभवलां हें? तुमीं एखाद्री आयकल्या आसत ही गजाल.

तरनाटो : ना. हांवें अणभवलां हें.

लेखक : बायल ही सदांच सती–सावित्रीचें रूप आसता. ती आपल्या प्रियकराचो प्राण यमाकडल्यान हाडटली. पूण कॅन्सर जाला म्हुण ताका सोडचीनां. तुमी बायलजातीची बदनामी करतात गरजे भायर.

तरनाटो : हांव बदनामी करींना. ताणें म्हाका सोडलो. हें धडधडीत सत्य. आनी तुमीं म्हणटात हांव फट उलयतां?

लेखक : कितें, तुमकां ?

तरनाटो : हय. म्हाका जाला कॅन्सर म्हणून ताणें म्हाका सोडलो.

लेखक : म्हजो विस्वास बसनां.

तरनाटो : कसो बसतलो? तुमीं ते स्टेजींतल्यान वचूंकच ना. तुमीं हे चार वण्टीच्या पांजऱ्यांत बसून, आसमंतांत विहार करपी प्रेमी जिवांच्यो कल्पनाच करीत उल्ले. आनी जाणें प्रेम केलां-जाचो प्रेम भंगला, ताची गजाल ताणें खासा अणभव घेवन लेगीत तुमी फट थारावपाचो अट्टाहास करतात. हांवें केला मोग ताजेर. आनी ताणें म्हाका कॅन्सर जाला म्हण सोडचो? होच ह्या मोगाचो अर्थ?

लेखक : तुमीं सांगतात जाल्यार सत मानचेंच पडलें. पूण ताजो मोग खरो आशिल्लो. तुमचो न्हय. तुमकां कॅन्सर जाला म्हुण तुमींच ताचेपसून पयस जावपाचें. ताज्या सुखाखातीर.

तरी बरें, तें आपुण जावन पयस गेलें. नांतर ताका वेगळाव-पाक तुका खुपूच कश्ट जावपाचे. कॅन्सरापरस चड वेदनां भोगपाच्यो.

तरनाटो : म्हणजे ताणें केलें तें बरोबर म्हणटात तुमीं ? होच प्रेम ताजो म्हजेर ?

लेखक : हय ताणें प्रेम तुमचेर केलो. तुमच्या कॅन्सराचेर न्हय.

तरनाटो : ताचो म्हजेर प्रेम आशिल्लो काय कितें हाचोय दुबाव हालीं हालीं म्हाका येवंक लागला. तें फकत म्हज्या गळयारूच प्रेम करतालें आसूं येता. म्हजो आवाज गेल्या बराबर ताणें म्हाका भिरकावन उडयलो. मोडक्या रिकॉर्डीवरीं.

लेखक : फुटिल्ली रिकॉर्ड तुमीं कितें पुजेक लावपाचे ?

तरनाटो : पूण तातूंत मनशाच्यो भावनां घुसपल्ल्यो आसतात ताचें कितें ? ह्या पेनान तुमीं बरयतात. ताचो आपार मोडळो जाल्यार तुमीं भायर उडयतलें तें ? तें सारकें करपाचो यत्न करचेनांत ?

लेखक : करतलों

तरनाटो : मागीर मनशाच्या बाबतींत हे अशें कित्याक घडटा ? हांव बरो जायसर वाट कित्याक पळयली ना ताणें ? प्रेमाची अशी फकाणां कित्याक केलीं ?

लेखक : म्हणूनच हांव फट म्हणटालों ही गजाल. कोणांचोच विस्वास बसचोंना हे गजालीचेर, ही गजाल खरी थरत जाल्यार, रोमिओज्युलेत, हीर-रांजा हांच्या प्रेमाचोय लोक दुबाव घेतले.

तरनाटो : हांवें म्हजें उदारण दिवन सांगले तुमकां. म्हणूनच तुमी ती कथा बरयात. ताणें वाचूंदीं ती. म्हज्यो वेदना कळूंदी ताका. हांव म्हज्यो भावना ताका डायरेक्ट सांगूंक शकनां. तुमीं कथेच्या रूपान, ही कथा ताज्या मुखार दवरात.

लेखक : पूण म्हाका दिसना ती बरोवची म्हुण. म्हजें पेन चलपाचें ना.

तरनाटो : कित्याक ? सत्य आसा म्हण ?

लेखक : तशें म्हणूंक हरकत ना. पुराय सत्य सुर्याच्या उजवाडा इतलें चकचकीत सत्य लोकांक पचना. म्हणून सुर्याकडे पळयतना लेगीत दोळयार काळो हारसो धरचो पडटा. म्हज्यान ती सत्य गजाल बरोवंक जावंचीना.

तरनाटो : तुमकां ती बरोवचीच पडटली.

लेखक : तुमी म्हाका फोर्स करूंक शकनांत.

तरनाटो : तुमीं तो बरोवंकच जाय. नातर...

लेखक : नातर कितें खून करतलो म्हजो ? एका अनवळखी मनशाच्या घरांत वचून ताका धमकावपाचो परिणाम खबर आसा तुमकां ?

तरनाटो : पुराय आसा. हांव कसल्याच परिणामाक भिना. म्हज्या सुंदर आवाजावांगडाच, म्हजी सुंदर प्रेयसी गेली. आनी आतां कितें उल्लां ? हांव तुमचो आतां खून लेगीत करूंक शकतां. तुमकां ही कथा बरोवंचीच पडटली.

लेखक : तुमीं बळजबऱ्यां म्हजे कडल्यान हें काम करून घेवंक सादतात तर ! तुमकां ही गजाल सादचीनां.

तरनाटो : तुमकां दिसता हांव तुमकां मारूंक शकना म्हुण ! ज्या मनश्याच्यो वेदनां एक लेखक लोकांमुखार मांडूंक शकनां ताचो ह्या संवसारांत उपेग कितें ? नाका जाल्ल्यो कल्पना रंगोवन लोकांचें मनोरंजन करचे परस ताणें ह्या संवसारांतल्यान गेल्लेंच बरें.

लेखक : तूं म्हाका धमकी दिता ? भेसडायता ? चलूंक लाग हांगच्यान.

तरनाटो : हांव एक तर तुजेकडल्यान ही कथा बरोवन घेतलों ना तर तुजो जीव. सांग बरयता काय ना तूं ?

लेखक : ना बरोवंचोंनां. तुवें ती अणभवल्या जाल्यार तूंच बरय.

तरनाटो : हांवें बरयल्यार लोक म्हणटले कि हांवें खरी गजाल बरयल्या. म्हज्या जिवितांतली.

लेखक : तेंच तर तुजें साद्य !

तरनाटो : म्हज्यो भावना फक्त ताका एकल्याकूच कळूंक जाय. लोकांक नाका. लोकांक कळ्ळचार लोक ताका केणटले. ताका वायट नदरेन पळयतले.

लेखक : मागीर हांवें बरयल्यार तशें घडचेंनां हें कित्यावेल्यान ?

तरनाटो : कारण तुज्या जिवितांत हें असलें घडुंकूच ना.

लेखक : कोण सांगता घडूंक ना म्हण ! घडूंक नाशिल्ली जाल्यार हांव जेरूल बरयतलों आशिल्लों. ही सत्य आसा म्हण हांव बरयनां, म्हणूनच हांव ती फट आसा म्हण सांगपाची धडपड वेदोळ सावन करतां. म्हज्याय जिवितांत ही गजाल घडल्या. पूण म्हाका मनापासून दिसता कि ही गजाल लोकांनी फट म्हणची म्हण. आनी म्हाका म्हज्या प्रेमाचें प्रदर्शन जाल्लेंय नाका.

तरनाटो : पूण बरोवंक कितें जालां ? कितें हरकत आसा ?

लेखक : जायती आसा. स्वताक जें दुख जाता तें कोणेंय बरोवन जर वाचूंक दिलें तर तें भोगपा परस चड लागता. म्हाका दिसनां कि हांवें जी शोकांतिका बरयल्या ती ताणें वाचची म्हुण. ताणें ती वाचली जाल्यार, ती वाचून ताज्यान रावंक जावचेंना. आनी ताका दुखता म्हणपाची कल्पनाच म्हाका सोंसना.

तरनाटो : कोण तें ?

लेखक : म्हजी प्रेयसी. आमी दोगांयनीय खूप प्रेम केलें. ताका हांव जें कितें बरयतां तें खूप आवडटा. तें म्हज्या प्रेमांत पडलें. हांव जें कितें बरयतां तें आपलेच खातीर अशें तें मानतालें. आजून मानता. पूण... हीं सपनां खंयचे खंय नाच जालीं. म्हाका कॅन्सर जालो.

तरनाटो : कितें ?

लेखक : निमणे स्टेजीर आसां हांव. म्हाका कोणूच वाचोवंक शकना देव लेगीत. ताका जेन्ना ही गजाल कळ्ळी तेन्ना तें म्हजे

पसून पयस गेलें ना. हांवें ताका तोडलें. हांव जाणा आशिल्लों कि तें म्हजेपरस चड प्रेम म्हज्या साहित्याचेर करता. म्हजें उरिल्लें आयुश्य म्हाका साहित्यांत घालून, ताका चडांत चड प्रेम दिवपाचें आशिल्लें म्हाका. कारण म्हज्या उपरांत तेंच ताका सांगात दितलें म्हणपाचें हांव जाणां. म्हणून म्हजी कथा म्हजेचकडे दवरून हांव ताजे पासून वेगळो जालां. ती कथा बरोवंची अशी दिसूनय हांव बरोवंक शकना. तें खूप सेंटीमेंटल. ताज्यान ही कथा वाचूंक जावचीना. म्हज्यान ताजी दुखां पुसूंक जावंचीना. म्हणून हांवच ही कथा दर खिणांक जियेतां. म्हाका माफ कर मित्रा, माफ कर.

(तरनाटो वचून बरोवप्याक थापटीता. लेखक थरथरत रावता)

●

- ○ कंडक्टर
- ○ ड्रायवर
- ○ तरनाटो १
- ○ तरनाटो २
- ○ अंकल
- ○ बाप्पा
- ○ चली
- ○ गंगाबाय

चार खांब्यांकडेन...

प्रायोगीक एकांकी

LIBRARY
774

माचयेर एक बोर्ड घेवन एक भुरगो उबो आसा. बोर्डार ' बस स्टॅन्ड ' अशीं उतरां आसात. रातच्या णवांचो वेळ. झिळमिटो उजवाड. गाडयांचो खडखडाट. मदींच हॉर्न. एक तरनाटो येता. हो जाय जाल्यार कंडक्टर, जाय जाल्यार किलींडर वा जाय जाल्यार हे एकांकीकेचो हिरो. तो येता आनो वरां पळयता. हांगा थंय पळयता. म्होंवाळ हांसता.

कंडक्टर : हांव कंडक्टर. आतां थोडोवेळ हांव म्हजें रूप बदलून सुत्रधार जातां. तुमीं आतां जें पळयतात, तें दृश्य गोंयच्या बस स्टॅन्डाचें. तो खंयचो हें मात विचारूं नाकात. तुमकां जाय तो धरात. पणजेचो, म्हापशेंचो, मडगांवचो जावं वास्कोचो. शारांचीं नांवां वेगवेगळीं आसलीं तरीय सगळेकडचे बस स्टॅन्ड एकूच. हांव तुमकां ता अमुकच म्हण सांगनां. कित्याक जाय तें गरजे भायर झंझाट ! सारकें मू ?

आवाज आयकून तुमकां पयलीं दिसलां आसतलें कि हें खंयचेय खणी वयलें दृश्य काय म्हण ! पूण हांव खऱ्यांनीच सांगतां, हो गोंयचो शारांतलो बसस्टॅन्ड. हांगा पडिल्ल्या फोंडांचेर जावं पातळिल्ल्या काळखाचेर वचूं नाकात. हांगा म्युनिसीपालीटीन लायटी घाल्ल्यो. पूण त्यो गेल्यो. आमी पूण तांकां गरजेभायर घाळी कित्याक घालप ? लायटी त्यो वतात आनी येतात. (वरां पळयत.) हो पाडपडिल्लो ड्रायवर खंय गेलो काय ? बसला आसतलो कुट्ट करीत खंयतरी ! निमण्या वराराक पडटकच हें अशेंच घडटा. हो तो पळय थंय विडयो फुंकीत उबो आसा. (तोंडांत बोटां घालून शिळोणी घालता.)

ड्रायवर : (थंयच्यानूच) जालो रे टायम ?

कंडक्टर : (आतां भास बदलून) थुंय रावन इचात्ताय टायम जालो काय म्हणोन ! बस हिंगा हाडून लाय. पासिंजर येत जाल्यार म्हाका ज्यास्ती मात्तेले.

ड्रायवर : हाडटां चेडयेच्या. तूं बोब मारीं नाकाय. (बस स्टार्ट

मारिल्ल्याचो आवाज. उपरांत ड्रायवरचो भेस केल्लो एक जाण्टे पिरायेचो मनीस तोंडांत विडी घालून, एक स्टूल कुल्यापोंदा धरून बस चलयल्ल्या प्रमाण अॅक्टींग करीत येता. बस हाडून ‘ बस स्टॅन्ड ’ बोर्ड आसा थंय लायता. कंडक्टर वचून दोन बांक हाडून स्टुलाफाटल्यान दवरता.)

कंडक्टर : ही जाली बस. आतां कोणांक जाय तेन्ना येवंदी. तुयें घेहलें मुरे कितें ? हांव येतां रोखडो.

ड्रायवर : आतां खुंय वेताय रे तूं ? या आमी. बेश्टो. कित्याक टायम काडया आमीं हिंगा ? झक मारपाक ?

कंडक्टर : आतां णव जाताय थुंयच आहा. रावया पांच मिण्टां. तूं लायट पेटोवन दवर. येतां हांत्र दोन मिण्टानी.

ड्रायवर : राव रे हावूंय येतां. घाल मुरे म्हाकाय आठ आण्याचें.

कंडक्टर : आतांच भरोन येयला मुरे तूं ! सामको बाण जातकच गियरां घालच्या बदला आनी खुंयीय हात घालशी. हांव येतां एक सिगार घेवन.

ड्रायवर : राव रे हांवूय येतां. म्हाका हिंगा एकटचाक दवरून वेताय तो ! घाल म्हाका आठ आण्याचें. मागीर रुपया दाम रे !

(कंडकटरा फाटोफाट वता. कांय वेळान एक तरनाटो येता. हातांत सिगरेट. बसीक बारीक साणेन वयर सकयल पळयता.)

तरनाटो : बस खंय वता रे ही ? (मात्सो वेळ रावून) बस आगशी रे ? भितर कोणूच ना दिसता ! पाडपडिल्ले बस दवरून खंय गेल्यात देवाक खबर ! माल्दिसांव पडलां ह्या कंडक्टरांचेर !

(सिगरेट ओडीत उबो रावता. एक अंकल येता. पुर्तुगेज टायप.)

अंकल : कारेंर खुंय वेता रे ?

(तरनाटो ओगी.) कारेंर खुंय वेता रे ?

तरनाटो : खंयची कारेंर ?

अंकल : ही कार्रेर खुंय वेता ?

तरनाटो : ही कार्रेर न्हय. ही बस.

अंकल : ह्यो बोसी बिसी आतांच्यो. इंदियान जाल्ल्याच्यो. आमची कार्रेरीच. पुर्तुगेजा तेंपार ओहल्यो बोसी आहल्यो ? कामियांव. ही कार्रेर खुंय वेता ? आगशी मुरे ?

तरनाटो : हय आसतली.

अंकल : कितल्यांक वेता ?

तरनाटो : वतली आतां.

(थोडो वेळ दोगूय ओग्गी.)

अंकल : टायम जावन गेलो. णवाक मुरे ही कार्रेर ?

तरनाटो : ती केन्ना आनी खंय वता हें म्हाका खबर ना. म्हजो जीव खांव नाका.

अंकल : आर्रा ! तांपार सो जाताय मुरे ! आतां इंदियान जावन किलींडरांक लेगीत फितां चोडल्यांत.

तरनाटो : कोण किलींडर ! हांव किलींडर दिसतां ?

अंकल : तूं किलींडर न्हुंय ? दीसकुल्प. आतां इंदियान जाल्ल्याक कोण किलींडर आनी कोण पात्रांव हें लेगीत वोवखोंक येना. तूं किलींडर न्हय जाल्यार हिंगा कितें कोत्ता कार्रेरीकोडें ?

तरनाटो : (तापून) तूं हांगा कितें करता ?

अंकल : हांव आगशे वचोंक राबलां हे खबर ना तुका ?

तरनाटो : आं ! तूं आगशी वता. अंकल ! पूण ही कार्रेर आगशी वचना. म्हापशां वता. आगशीची थुंय आहा. ती पोय सुट्टा. धांव मार.

अंकल : तिगा आहा ? जावं सायबा. तुयें सांगोन बऱ्याक पडलें. आतां हें इंदियान जालां आनी कार्रेरी खुंयचे खुंय धांबयताय. (ताकतिकेन वता.)

तरनाटो : इंदियान खंय ! वच मर आतां. गरजेभायर सतायतांत पाडपडिल्ले.

(इतल्यान आनीक एक तरनाटो येता.)

तरनाटो २ : आरे राजू, आसा मरे बस ?

तरनाटो १ : आसा. पूण ड्रायवर–कंडक्टरांचो पत्तो ना. वतले काय किते कोणाक खबर? तूं खंय झक मारतालो फाटल्यान? म्हाका मुखार धाडलो आनी तुजो पत्तोच ना.

तरनाटो २ : हो न्हय आयलो तो! वाटेर मुतूंक राविल्लों. मुत्ता आसतांनच म्हन्यांत एक शेंपल आयलें. आगशीची बस सोडतालो. ह्या जाण्टेल्यांक रातची भोवपाची कसली खाज म्हुण कोण जाणां ?

तरनाटो १ : आतांच हांगा आशिल्लो तो. म्हाका सतायतालो. धाडून दिलो हांगच्यान. हांव कंडक्टर कसो दिसलो खंय ताका. सोदता आसतलो आतां म्हापशेंची बस !

तरनाटो २ : म्हणजे तुवें धाडिल्लो तर ताका? कारेंर कारेंर करीत भोंवता. म्हाका म्हण्टा पयलीं कारेंर खंयची ती सांग आनी मागीर मूत. म्हाका दिसनां हें अवचीत्र आयज पावत म्हण आगशी.

तरनाटो १ : तो मसणांत वचूं! आमीं तरी पावतले मरे आज घरा? हो ड्रायवर खंय दिश्टीच पडना ?

(ड्रायवर आनी कंडक्टर येतात.)

कंडक्टर : चल रे मार इस्टार्ट. हे पळय दोग जाण आसात. या आमीं.

ड्रायवर : येयले तेय इस्टुडंट मुरे! पोनवोत लागली. आयज कोपाचेंय सुटपाचें ना मिस्ता !

तरनाटो १ : आरे साडेणव जालीं. घरा पावंक जाय. मार स्टार्ट.

कंडक्टर : तुमीं खंय वतात ?

तरनाटो २ : व्हडल्या गोंयां. कितल्यांक वतलो ?

कंडक्टर : बेगीन पावपाक जायें जाल्यार बेगीन येवपाचें न्हय? ही निमाणीं बस. पासिंजेर जातकच वचपाचें.

तरनाटो १ : तशें जाल्यार सकाळमेरेन रावया.

(एक जाण्टेलो बाप्पा येता.)

बाप्पा : बस खंय फोंड्यां रे ?

कंडक्टर : तूं खंय चल्लो ?

बाप्पा : म्हापशां.

कंडक्टर : मागीर फोंडेची बसशी कित्याक सोदता ?

बाप्पा : तुमीं कंडक्टर जाण्टयांक बशींत खंय घेतात ? म्हापशां काय विचाल्ल्यार तुमीं ना म्हण सांगतले ! ही बस म्हापशां मरे ?

कंडक्टर : ना.

बाप्पा : पळय, हांवें सांगूंक नाशिल्लें ! हांव जाणांच आशिल्लों, तुमीं ही बस म्हापशां वचना म्हुण सांगतले म्हुण. हांव कितें पयशे दिना रे ?

कंडक्टर : तूं पयशे दिता म्हण हांवें कितें बस म्हापशां व्हरपाची ? म्हापशेंचो बस वेदोळ गेली.

बाप्पा : मागीर हांव म्हापशां पावना तर !

तरनाटो १ : बाप्पा, स्पेशल बस करून वच आतां.

बाप्पा : तें तुवें सांगपाचें लागना रे म्हाका. हांव जाणां कितें करपाचें तें.

तरनाटो २ : बाप्पा, कित्याक तापता भुरग्यांचेर ? तुका ताणें सल्लो दिलो. जाण्टयांक भुरग्यांनीं सांबाळचें पडटाच न्हय !

बाप्पा : आपसुलाद भुरगे मरे ! तुमचे कडल्यान सल्लो घेवंपाक हांव कितें बोमान दूद पियेतां रे ? पावसाळे काडल्यात हांवें.

तरनाटो १ : कितें दूद पीत ? कित्यान पिताली बाप्पा तूं दूद ?

बाप्पा : देख नाशिल्ले भुरगेमरे. तवनास खंयचे कडले !

तरनाटो २ : बाप्पा गाळी घालूं नाका अशो रातीच्यो. वच चल म्हापशां. नातर हांगाच आनीक एक पावसाळो सरतलो. म्हाऽऽपिशे खंयचे !

कंडक्टर : बाप्पा, तूं त्या भुरग्यांच्या तोंडाक लागूं नाका. चल वच तू. नातर आयज म्हापशां पावपाचो ना.

बाप्पा : कसो वच म्हण्टां म्हाका. तूं पायता ? आतां रातीची बस खय आसा ?

तरनाटो १ : पाय रे ताका म्हापशां व्हरून. बाब बरो ! जाण्टो मरे तो.

तरनाटो २ : जाण्टो जाल्यार घरा बसचें. रातचें भोवपाक कित्याक जाय ?

(इतल्यांन वदळचो अंकल खर्शेत येता.)

अंकल : आर्रां तो तोरपाशोर किलिंडोर ! फुंय रे तो ?

कंडक्टर : कितें जाले गा अंकल ? कित्याक धांवता वाग फाटीक लागिल्ल्यावरीं ?

अंकल : वाग फाटीक लागल्यार बोरें. पूण तुमीं बोसीकार न्हय. मालांद्र, म्हाका आगशीची बोस तिंगा म्हणोन सांगता ? तरी बोरें, बोस म्हापशां पावचे पोयलीं गोमलें म्हाका ती बोस म्हापशेंची म्हणोन.

बाप्पा : म्हापशेंची बस ! खंय, खंय आसा ?

अंकल : गेली केदोव.

बाप्पा : गेली ? मागीर म्हाका कित्याक सांगलींना !

अंकल : तुयें म्हाका खुंय विचाल्लें ?

बाप्पा : तूं म्हाका खंय मेळ्ळा! तुज्या घराकडेन येवन विचारपाचें? खंय गेली ती बस ? आतां मेळटली म्हाका ?

अंकल : पावली आसतली ती म्हापशां. पुलार पावतकच कोवोन बोऱ्याक पोडलें. ही बोस मुरे आगशीची ? जावं सायबा, हें इंदियान जालां आनी खुंयची बोस खुंय तेंच सजमना.

बाप्पा : तें आसूं गा. म्हापशेंची बस गेली म्हण्टा ? मागीर ही खंय चल्ली ?

(गंगाबाय येता. आंगान अगडबंब. केळीं विकपी म्हण कळटा.)

गंगाबाय : तुका कित्याक रे हांव फुंय वयतां तें !

बाप्पा : तुका विचारूंना हांवें. बस म्हणटालों हांव.

गंगाबाय : हांव बरें जाणां कोणांक इचात्ता तें. तूं पोयलेच पावट चोडटा काय कितें रे हिजेर ? तुका फोबोर ना ही आगशी

बोस म्हणोन !

बाप्पा : खबर आसल्यार विचारतालों ? ही बस आगशी रे ?

कंडक्टर : कितले फावट सांगूक जाय तुका ही बस आगशी वता म्हण.

अकल : खोरेंच ? जावं सायबा सू ऽ ऽ जालें.

बाप्पा : म्हाकाय शांतादुर्गा पावली. चला या मरे आगशी ?

कंडक्टर : तूं म्हापशां वतालो न्हय गा !

बाप्पा : हय रे ! पूण आतां हांवें निर्णय बदल्लो न्हय म्हजो ! वारो येता तशें सूप धरूंक जाय आनी बस वता तशें मनशान वचूंक जाय.

अंकल : (भितल्ल्यान) कोंकणो कुंपलिकाद मुरे ! बोस मेवता तिंगा वोयता. शीर फाल्त आ'हा काय कितें? धारा इचात्तलो–पाचात्तलो कोण ना मिस्ता !

बाप्पा : विचारतलो ना ! म्हजीं घरचीं म्हजी जी कुयदाद घेतात पळय ती सोसपाची न्हय. पूण जालें कितें ! हांव घरा सांगून आयिल्लों कि पाळयांत धुवेगेर वतां. पूण दनपारचें कल्ल्यांचे आनी ताल्ल्यांचें सुकें उल्लां थोडें. वा ! वा ! अजून जिबेवयली रूच वचूंना. तें कितें फाल्यां मेळटलें! घराकडे बंडलां मारूं येतालीं, आगशीची बस चुकली म्हुण.

तरनाटो १ : आतां धुवेगेर वचून खरें सांग. म्हापशेंची बस चुकली म्हण.

बाप्पा : बस चुकली म्हण पर्वा ना रे पूण सुकें चुकलें ताजें कितें ?

तरनाटो २ : धुवेगेर मेळटलें.

बाप्पा : तूं उलोंव नाका ओगी बस थंय.

गंगाबाय : आरे, फुंय रे तो कंडक्टर ! या मुरे. कळाव जालो.

ड्रायवर : (सिटाचेर बसून) आरे या चल. घरा बायल हुसकेतली. बेश्टो वेळ काडिनाकाय.

कंडक्टर : चलात, चलात. कोण येवपी आसात ते वयर चडांत (सगळे ताकतिकेन भितर चडटात आनी बसतात.) चल रे मार स्टार्ट. (ड्रायवर स्टार्ट मारता. दोनतिनदा ड्राय

करतकच बस सुरू जाता. मोठ्यान रेस करता. एक चली धांवत येता.)

चली : राव रे. राव !

तरनाटो २ : हें आनी कोण आयलें आतां !

(सगळीं भायर पळयतात.)

चली : आरे, बस खय चल्ली ?

कंडक्टर : आगशी. चल या रे आमीं.

चली : आरे, हांव येतां. म्हाका बांबोळे हॉस्टेलांत वचूंक जाय.

बाप्पा : ह्या आतांच्या चलयांचेर सांवार आयला. आमचे भुरगेपणार आमीं आमोरी जावंचें पयलीं घराकडे पावून परवड म्हण्टाले. पूण आतांचे चले सोडाच, चलयो लेगीत रातभर भायर हेडटात.

अंकल : इंदियान जालां न्हुय रे आतां ! आमच्या तेंपार पाकल्यांच्या भिरांतेक लागोन एक चेडूं भायर सरपाक आहलें ! आतां कोणांक कोणाची भिरांतूच उरोंक ना.

तरनाटो १ : तुमची भिरांत आसली म्हुण तुमच्या तेंपार ती भायर सरनासलीं.

तरनाटो २ : आनी भायर सरिल्लीं जाल्यार हे आमोरेर घरा पावपाचे ? न्हय गा बाप्पा ! आरे घेरे ताका. उरत तें हांगाच.

कंडक्टर तूं हॉस्टेलांत वता ?

चली : हय, हय.

कंडक्टर : मागीर हांव तुका व्हरना. रिक्षा करून यो.

चली : कित्याक, बस वचना ?

कंडक्टर : बस वता. पूण तुका हांव व्हरना. हे बसींत आयज तूं एकलीच चली मनीस आसा.

चली : हांव एकटें आसां म्हणूनच व्हर म्हण्टां.

कंडक्टर : तूं हे बसीर येवं नाका. तुका वचूंकच जाय जाल्यार टॅक्सीन वच.

चली : पूण तुका व्हरूंक कितें जालां ? सगळचा लोकाक तर तूं व्हरता. हांव फिफ्टी परसेंट न्हय. हांव फूल तिकेट फारीक करतलें.

कंडक्टर : तुवें आख्खे बसीचो प्रायस दिल्यार लेगीत हांव व्हरपाचो ना.

गंगाबाय : घे रे तेका. बेश्टो कित्याक सतायता तेका ? चड गो तूं.

(तें चडपाचो यत्न करता. कंडक्टर ताका आडायता.)

कंडक्टर : तुका व्हरचे परस हांव बसूच व्हरचोंनां. बस बंद कर रे.

अंकल : आर्रा ! बोस व्हरपाक ना! कापाजदाद मुरे तुजी ! एका चेडवाक लागोन येदी व्हडली बोस व्हरनां म्हुण्टा ? चल सोड.

चली : पूण हांव कितें करूं रातीचें ! खंय वचूं ?

कंडक्टर : तें म्हाका पडूंक ना. दिसाचें जाल्यार व्हरतलों आशिल्लों. आतां रातीची हांव कसलीच जापसालदारकी घेवंक तयार ना.

तरनाटो १ : आगो बाय, इतले पायां कित्याक पडटा ताच्या ? वचून कंम्प्लेन कर. येतलो जाग्यार. आतां आमकां वचूंदी.

चली : आतां रातचें खंय घेवन बसूं हांव त्यो राटावळी ? हांव पायां पडटा तुमच्या.

बाप्पा : बाबडें काकुटेक आयलां मरे ! चुरचुरे रे बाबडचाचे. घे रे ताका.

तरनाटो २ : जावं रे. त्या जाण्टयाचें तरी आयक. चल यो गो.

तरनाटो १ : पूण ही पब्लीक बस जावन लेगीत ताज्या पायां कित्याक पडप ?

तरनाटो २ : आरे हय मरे ! जागो आसतनाय पसेंजर घेना म्हणचे कितें ? हीं मस्तेपणां जालीं मरे ! घेता काय ना रे तो ताका ?

कंडक्टर : पूण वाटेर कितेंय बरें-वायट जायत जाल्यार हांव काय जापसालदार ना.

चली : कितें घडटलें वाटेंत ? हांव बांबोळे पावल्यार पुरो. कांयच घडचेंना.

कंडक्टर : तूं म्हाका सांगता ! तेंय एकदीस अशेंच म्हणटालें मुंबय वतना. पूण घडलें काय ना ? जालो काय ना ताजो आनी म्हजो संवसाराचो इबाड.

अंकल : कितें, संवसार इबाडलो ? आतां इंदयान जावन आख्खो संवसार इबाडला. थुंय तुज्या आनी संवसाराचें खुंय घेवन बोह्लाय रे !

चली : तुजो संवसार आनी म्हजें बसींत येवप हाचो संबंद तरी कितें ?

कंडक्टर : जायतो आसा. बसीनूच तर म्हजो संवसार इबाडला. त्या दिसाची ती रात. हांव आनी म्हजी बायल मुंबयच्यान येतालीं. आनी त्या बसीच्या कंडक्टरान वाट लायली सगळी. बसींत बशिल्लेकडेन म्हजे बायलेचो गैर फायदो घेतलो ताणें. तिका विटाळून तिजो जीव घेतलो त्या देंवचारान.

बाप्पा : भल्लेले बसींत ! अजापूच म्हणपाचें !

अंकल : आगा, हें इंदियन जाल्ल्याक अजाप तें कांयच ना. उजवाडांतलेगीत आयज बायलांक भोंवपाचें उरोंक ना.

कंडक्टर : तेन्ना उजवाड नाशिल्लो. रात जाल्लो. सावंतवाडी बस पावली आनी बस बंद पडली. आमी सगळे पॅसेंजर देंवले. म्हजी बायल बसींतूच बसून आशिल्ली. बरें दिसनां म्हुण सिटारूच न्हिदून रावली. कंडक्टरान बस तपासपाक डेंपोत व्हेली. आनी थंयच तिजेर बलात्कार करून तिजो जीव घेतलो.

गंगाबाय : आतांच्या कंडक्टरांचेर सांवारूच येयला. जालें तें जालें. चल या आमीं आतां.

कंडक्टर : आमी या. पूण हांव रातचो खंयचेच्च चलयेक जावं बायलेक घेवपाचो ना बसींत.

तरनाटो १ : मागीर गंगाबायक देंवय सकयल. चल गंगाबाय. तेय चलयेक सांगात जातलो.

गंगाबाय : म्हुजें कोण कितें कोत्तलो तें करूं ? ह्या कंडक्टराक हांव आटापा येतां ? तेजें सोडून दवरपी हांव. केंयांचो धंदो केला हांयें.

चली : पूण तुजेर म्हजो विस्वास आसा. तूं तसलो मनीस न्हय.

कंडक्टर : मनशांचेर विस्वास दवरता तूं ? मनीस आपलें रूप बदलून केन्ना जनावर जायत हें सांगूं नज.

चली : पूण म्हजो विस्वास आसा न्हय तुजेर ?

कंडक्टर : म्हजेर आसत. पूण हेर लोकांचेर आसा ?

तरनाटो १ : आरे घे तूं ताका. आमकांय तूं तांतलो समजूं नाका. दुदान जीब भाजल्या म्हण तूं ताक लेगीत फुंकता. आमीं पळयतात कितेंय घडत जाल्यार.

गंगाबाय : यो गो तूं ! ओहें म्हुज्या शेजराक येवन बस.

(चली वयर चडून गंगाबायच्या शेजराक येवन बसता.)

कंडक्टर : चल या रे. मार स्टार्ट.

(ड्रायवर बस स्टार्ट मारता पूण ती स्टार्ट जायना.)

तरनाटो २ : म्हाका दिसता आतां ड्रायवराक ही बस डेपोंत व्हरची पडटली.

(बस स्टार्ट जाता. एक एक स्टॉप फाटीं वता हें दाखोवपा खातीर दर सुवातेर ‘बस स्टॉप’ चो बोर्ड घेवन मनशाक दवरचो आनी बसीचे उरफाटे दिकेन धाडचो.)

अंकल : पुर्तूगेज आसतनां काय बरे आमचे कामियांव आहले. कितले फांस वेताले. आतां हें इंदियान जालां आनी सोगलेंच मुदार जालां. रेडयांगाडी फांस वेतेली. पूण ह्यो बसी न्हुय.

तरनाटो १ : आरे ड्रायवर, बस मात्शी फांस चलयल्यार बरें जातलें.

बाप्पा : तुमकां कळाव जाल्यार जाता. म्हाका उसरां पावत जाल्यार जेवण मेळचें ना. हांव येतलों म्हण कळयल्लें तर वेगळी

गजाल आशिल्ली.

कंडक्टर : मानशेर ! मानशेर कोण आसा ?

गंगाबाय : कोण ना रे. वोच तूं. सामको बद्द कालाफुरा राव आतां. (पान काडून तोंडात चोंबून चघळायता) हांव देंवपाचीं आहां. (सगळे ओग्गी. बस चलता. मदींच हॉर्न. बस थोडी मुखार वता आनी गचके खावन बंद पडटा.)

तरनाटो २ : जालें. पडलें पाड ? ह्यो बसी अशोच. रातीच्यो तरी बऱ्यो दवरच्यो रे !

कंडक्टर : कितें जालें रे ?

ड्रायवर : कांय सजमोना. बंद शी जाली. वारो जाला आसतलो.

कंडक्टर : मात्शी पळय पळोवया.

(ड्रायवर खाटखूट करता. अकस्मात लायट वता. माचयेर पुराय काळोख.) कितें जालें रे ? लायटूय गेली ?

ड्रायवर : तूं भितर कितें कोत्ता ? म्हाका हिंगा एकटचाक कितें मोडें कोर म्हुणटाय ?

कंडक्टर : हांव काळखांतल्यान कसो येवं ? मात्शें फस्क उडय पळोवया.

ड्रायवर : म्हाका मेवोना फस्क. तिंगा पोय. आसतेलें खुंयच्याय पासेंजरालागीं.

कंडक्टर : कोणाकडे फस्क आसल्यार दियात पळोवया मात्शें !

बाप्पा : म्हजेकडे आसा. दिवं ?

तरनाटो १ : आरे दिवं काय म्हण कितें विचारता ? काड आनी दी एकदांचें.

(बाप्पा फस्क काडून दिता. तें सकयल पडटा.)

कंडक्टर : हात सारके ना रे ? उडयलें पळय सकयल.

बाप्पा : काळखांत तुजे हातार दवरूंक चुकलों. मात्सो सकयल बसून पोशेय पळोवया.

(कंडक्टर आनी बाप्पा सकयल बसून फस्क सोदतात.)

गंगाबाय : बेगीन पोयात रे. म्हाका भंय दिसता.

तरनाटो २ : कोण खायनां तुका. ओगी बस थंय.

बाप्पा : हें पळय मेळ्ळें फस्क.

अंकल : म्हुजें बोट मुरे तें पायांचें ! कितें ओडटा ? इंदयान जालां आनी तुमीं कितेंय ओडटा. कावखांत फसक मेवोनां जाल्यार हो बॅटरे दिवो घे आनी सोद.

(बॅगांतल्यान टॉर्च काडून बाप्पाक दिता. बाप्पा टॉर्च घेवन फस्क सोदता. फस्क मेळटा तशें टॉर्च पालोवन अंकलाकडे दिता. कंडक्टर फस्काची काडी पेटोवन त्या उजवाडांत सकयल देंवता.)

चली : टॉर्च आसतनां फस्काचो उजवाड कित्याक जाय तेंच समजना.

अंकल : हांवूय तेंच म्हुण्टां. हे इंदयान लोक तकली मात्शी फाल्त.

ड्रायवर : आरे वयर बसोन सिटां तापयताय ते सकला देवोन धुकलाय चोवया.

कंडक्टर : आरे मात्शे हात लायात. जातली रोकडी स्टार्ट.

तरनाटो २ : अंकल टॉर्च घे.

अंकल : आरे टॉर्च कित्याक गरजेभायर ? मात्शे सांसपीत देंवया सकल. म्हुजो टॉर्च तो. पुर्तुगेज. सकळा पडोन फुटलो जाल्यार मेवोंक आहा ? आसनीं तो पास्तांत.

(सगळे सकयल देंवतात.)

तरनाटो १ : बाप्पा देंव सकयल.

बाप्पा : म्हजेलागीं जाता रे येदी व्हडली बस धुकलूंक ? गंगाबायक व्हरात.

गंगाबाय : तूं दादलो जावन तुजेलागीं जायनां आनी म्हाका सांगता ? हांव बसतां रे हिंगा ह्या चेडवालागीं. तुमींच करात कितें करपा आहा तें !

(ड्रायवर बसीकडे झगडटा. सगळे बस धुकलतात. अकस्मात बसींत चलयेचो बोवाळ.)

चली : कोण ! कोण ! सोड म्हाका. आरे, कोणें तरी म्हाका घट्ट धल्लें.

कंडक्टर : कोण ? कोण आसा भितर ?

तरनाटो १ : आमी तर दोगूय हांगा आसात. ड्रायवर खंय गेला.

ड्रायवर : म्हाका पडलां म्हुजे बसीचें. तेका आनी घोट धरूंक म्हाका पाशियेंस आहा ?

कंडक्टर : अंकल टॉर्च दी बेगीन.

अंकल : पास्तांत आहा.

कंडक्टर : पास्तांत दवरूंक हाडला तुवें तो ? काड बेगीन भायर.

अंकल : इंदयान तर तो ? पडत जाल्यार फुट्टलो म्हुण भितरूच दवल्ला.

चली : सोड. सोड म्हणटा न्हय. आरे कोणूय दिवे पेटयात. हो पळय कोणतरी मुड्डीता म्हाका.

कंडक्टर : (धडपडत भितर सरून) भिवूं नाका. हांव येतां बसींत. (इतल्यान लायट येता. सगळ्याक थंडाय. जण एकलो अजापान भितर पळयता. चली भियेवन कडकडटा. गंगाबाय पान चबळीत आसा. बाप्पाचो ओंठ फुटून रगत येता. चलयेच्या पोल्यार रगताचे डाग.)

कंडक्टर : कोण ! कोण तो ? कितें जालें ?

चली : कोणेतरी म्हाका घट धरून आवुळ्ळें.

अंकल : शेर्त ही आजनेर. आमीं खुंय पावले रे आतां ! चार खांब्यांकडे मुरे ? मागीर शेर्त आजनेर. पोयलीं पुर्तुगेज आसतना केन्ना आजनेरी जातालयो हिंगा ? पूण इंदयान जालल्याक, चार खांब्यालागीं जावपी आजनेरी फामाद.

कंडक्टर : आजनेर खंयची ? ही बाप्पाचीच आजनेर. पळय ताज्या ओंठांक रगत लागलां. चलयेच्या पोल्याकूय रगताचो डाग आसा.

तरनाटो १ : म्हणून दिसता हो नज म्हुण सांगून. बस धुकलूंक देवूंक ना. वारे वा बाप्पा. ताजो बापूय सोब्रतलो तूं ! आनी ही असली आजनेर ? देंवयात ताका बसितल्यान. म्हातारचळ लागलां आसतलें.

तरनाटो २ : आमींच बरे आसात हांगा. पूण हे म्हातारे पिराय वाडटा तशी...

बाप्पा : हांव न्हय रे बाबा, हांव न्हय. हांव हांगाच आसां.

कंडक्टर : फट उलोंव नाका. तुजेंच कर्म तें. ना तर आनीक कोण आसा बसीत ?

तरनाटो १ : तोच तो. पळय ताजें रक्त येता.

बाप्पा : आरे पापयांनो हांव खरेंच सांगतां. हे पोरान किळच्यो मारूंक सुरवात केली तेन्ना हांव भियेलों. बेगबेगीन सकयल देंवक करतालों तो आपटलों. पळयात रक्त पसून आयलां.

कंडक्टर : व्वा ! व्वा ! आनी तें रक्त वचून चलयेच्या पोल्यार पडलें.

अंकल : इतको म्हातारो जालो तरी ओहलें कोत्ता ? पुर्तुगेज आहलेले तेन्ना आमी...

तरनाटो १ : तेन्ना तुमीं ओहलें कांयच कोन्ना आहले सोगले पाकले कोत्ताले. ओहें न्हुय अंकल !

अंकल : मालांद्र, लाद्रांव...

बाप्पा : हांव खरेंच सांगतां. हांव न्हय तो !

(कंडक्टर वचून चलयेच्या पोल्यावेलें रक्त काडटा.)

कंडक्टर : राव आतांच कळटलें. (बारकायेन रक्त पळयता.) हें कर्म बाप्पाचें न्हय.

गंगाबाय : मागीर कोण येयलो तर हिंगा, मांयचो मीण ? तेजेंच काम हें.

कंडक्टर : ताजें काम न्हय हें. हें तुजेंच कर्म !

गंगाबाय : म्हाजें ! कितें फकाणां कोत्ताय रे ?

कंडक्टर : हांव फकाणां करीना. हें रक्त न्हय. तुज्या तोंडातली पीक हा. पूण ती ताज्या तोंडार कशी पावली ?

गंगाबाय : उसवल्या आसतेली. तेका रे वेंग मात्र म्हाका कितें मेवतेलें ?

तरनाटो १ : तुवेंच माल्ल्या ती. हय काय न्हय ! सांग. ना तर व्हरतां तुका पुलिसेंत.

गंगाबाय : आसूं रे! कित्याक घेवन बसता? या आमीं आतां. हायें फकाणां केलेलीं. तुमकां भिरटावंच्याक.

कंडक्टर : फकाणां केल्लीं! काय तुवें काळखाचो लाव घेवन मुद्दाम वेंग माल्ली ?

तरनाटो २ : मुद्दामच आसतली. बसींतल्यान येतनां वतनां मुद्दाम चलयांमदीं बसून तांकां घस्टता.

बाप्पा : तरी बरें म्हाका वेंग माल्लीनां. जावं बाबा जाग्याचो पावलो म्हाका.

कंडक्टर : ती तुका कशीच मारचीनां. तुजो तिका फायदो ना. तिका उमेद मेळटा फकत तरण्यां चलयां बायलांकडल्यान.

बाप्पा : म्हणजे ती... ?

अंकल : जाण्टेल्या तें आनी सांगोक जायें. ओह्लें पुर्तुगेजा तेंपार खूप जातालें. आतां इंदयान जालां आनी...

तरनाटो १ : हें ओह्लें केन्ना केन्नाय घडटा. चल रे या आमी बेगीन. सोड बस.

(बस स्टार्ट जावन मुखार मुखार वचत रावता.)

○ ल्हार

○ खडप

○ पावला

○ गास्पार

○ गवर्नर

○ डायस

○ शिरिष

○ लिना

धारेपेलयान वच्चें आसा....!

प्रायोगीक एकांकी

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
774
Acc. No

दोनां पावलचो सोबीत वाठार. ल्हारांची गाज. मदींच शेवण्यांचें चिवचिवप. ल्हारांचो खडपांचेर पडून जाल्लो आवाज. एक ल्हार येता आनी आपलो पदर अचळय खडपार भोंवडायतां.

ल्हार : हे तांकां पळयलां ?

खडप : कोणांक ?

ल्हार : असो कितें येवजीत बसला ? आरे, तीं रे ! तीं पळय. थंय बाकार बसून गुलूगुलू गजाली करतात !

खडप : आं ! तीं गो ! पळयला हांवें !

ल्हार : (लटीक रागान) पळयलां हांवें खंय ! हांव बाबडें इल्लेशें ल्हार जांवन लेगीत हो आख्खो अरबी म्हासमुद्र, मांडवी न्हंय, जुवारी न्हंय हांचेर भोवून येतां. सगळ्या संवसाराची खबर तुका दितां ! सगळ्या देसांची खबर तुका सांगतां. आनी तूं येदें व्हडलें खडप जावनूय हांगा तडीर घडपी घडणुकांकडेन लेगीत लक्ष दिनां ? हांवें कितलें म्हण जळपेवप ?

खडप : आगो, आगो, पुरो तुजो राग. तुका तकालस जाता हें जाणा हांव. पूण हांव हांगा न्हिदो काडिना. सदांच पळयतां हांव तांकां ! खरेंच सांगता तुका हांव ल्हारा, मोग आसचो तो असो. म्हज्या आयज मेरेनच्या जिवितांत हांव हें दुसरें जोडपें पळयतां ! मोग करचो तर असो करचो. मोगाखातीर जियेवंचें आनी मोगाखातीर मरचें !

ल्हार : नाका नाका खडपा, प्लीज, असो मरणाचो विशय काडूं नाका, [illegible] जिवांचें मरण म्हळचार म्हाका कितेंशेंच [illegible]ता. काळजाक पोळ पडटा.

खडप : काळजा[illegible] जरी पडले तरी ह्यो यादी येताच. आपसूक येतात ते उगडास आनी हाडटांत वेदना तुफानांवरीं !

ल्हार : म्हज्यान जायनांत ते उगडास विसरूंक आनी दोळ्यांमुखार असलें कितेंय जीव पोखरपी घडटा तेंय पळोवंक जायना. पयर, धर्तरेवेल्या त्या विद्‌वाटच्या भुरग्यांनीं रूखार बशिल्ल्या

पारव्यांच्या जोडयेंतल्या नराक फातरांनी चेंचायलो. कितलें वायट दिसलें जाणां म्हाका ! एकसुरी पडली ती मादी बाबडी !

खडप : असल्यो ल्हान–ल्हान गजाली मनाक लावन घेवंक आमी मनशां न्हय ल्हारा. आमी सैम. जीव निर्मिती जांवचेपासून ती नश्ट जायमेरेन जें कितें बरें वायट घडटा तें आमकां पळोवंकच जाय. तांच्या सुखांत जर आमी सुखावलीं तांच्या सुखान भुल्लुसतलीं. तांच्या दुख्खांत जर घुस्पलीं तर आमचीं काळजां फुटून वतलीं.

ल्हार : तरीय आमी दोळे आसून कुड्डे जावंक शकनांत रे खडपा. म्हज्या दोळ्यांमुखार अजून तें पावला आनी तो गास्पार निळेता. कितलें सोबीत जोडपें ! कितें तो तांचो प्रेम ! पूण हे नियतीक तो मानवलोना. जीव दिवचो पडलो तांकां !

खडप : आसूं ! आसूं त्यो गजाली ! म्हज्या काळजाक लेगीत झर फुट्टली. तूं तांच्या यादींनीं अशें कळवळटा तें म्हज्यान पळोंव नज. पूण अशें करूंक फावनाशिल्लें त्या पिशांनी. दिशिल्लें कि तांकां हांवें जिखून धरचें वयल्यावयर. पूण हांव तर थल्लों खडप. वाचोवंक शकलोंना तांकां. म्हजेर पडून कुडके–कुडके जाले तांचे.

ल्हार : आनी हांवें तरी कितें कमी वावर केला तांच्याखातीर ! तांकां वाचोवपाखातीर कांयच करूंक शकलेंना आसत हांव. पूण तांचो मोग आख्ख्या संवसाराक कळचो म्हण, तुजेर पडिल्लें रगत दर्याभर पातळायलें हांवें. ह्यां संवसाराक दाखयलो हांवें खरो मोग म्हळ्चार कितें तें ! आजून लेगीत पुराय संवसार याद करता तांकां.

खडप : हय. आनी पावलाच्या बापायन, गवर्नर सायबान आपले चुकीचें परायचीतूय घेतलें. मिरामारचे वेळेक गास्पारचें नांव दिवन आपल्यावेलीं खता धुलीं ताणें.

ल्हार : वेळेक नांव दिलें म्हण गास्पारचें नांव अजरंवर जालें अशें

काय न्हय. मनशाक मारून उपरांत तांची यादस्तिकां बांदून जर परायचीत घेवं येतालें तर आयज हे धर्तरेचेर यादस्तिकांच्यो राशीच दिसपाच्यो. गास्पार–पावलाचें नांव अजरंवर जावंक यादस्तिकां नाकात. तांचो मोग पुरो. तांच्या मोगानूच तांकां अजरंवर केल्यात. खरेंच कितलो निर्मळ मोग !

खडप : हय... निर्मळूच म्हणूंक जाय. आयज शेकडयांनीं वरसां पासार जालीं. पूण आजुनय याद काडटात लोक तांच्या मोगाची. नातर हांगा येतात तीं हेर जोडपीं ! शीः ह्यांकां मोग म्हळ्यार कितें तेंच खबर ना ! कसले कसले चाळे करतात. सगळी वासना. आनी कांयच न्हय.

ल्हार : शी. नांव घेवं नाका तांचें. गास्पारा उपरांत हांवें एकूय तसलो प्रियकर पळोवंक ना. सगळे पाडपडिल्ले आपली वासनां भागोवपा खातीर हांगा येतात. दिसता, धांवडावन घालचें एक एकल्याक.

खडप : अशें जर तूं येवजीत जाल्यार, हे पुराय धर्तरेर तुका बुडटी हाडची पडटली. ल्हारा, आतां हे धर्तरेर शरिराची भूक भागोवप म्हळ्यारूच प्रेम अशें समीकरण जावन गेलां.

ल्हार : हेर सुवातांर करूं तांकां कितें करतात तें. पूण हे सुवातेर कितें चल्लां हें ! गास्पारपावलाच्या नांवाक काळें फासपी खंयचे कडलीं !

खडप : आमी अशीं वितरागून कितें करूंक शकतात ? तूं एक हुंवार हाडून तांकां ना करूंक शकता ? हांगा येवपी ह्या, वासनेच्या रेंब्यांत वळवळपी एक दोन किडयांक मारून उडयशी तूं. पूण आयच्या समाजामदीं निर्माण जाल्ले हे प्रवृत्तीक ना करूंक शकता तूं ? ना. ते परस आमी हांगाच रावन कितें घडटा तेंच पळोवपाचें.

ल्हार : हय तर ! आयज हजारांनी वर्सां आमी तेंच करीत आयल्यांत. कितले तरी लोक हांगा सुर्यास्त पळोवन गेले.

कितलीं तरी मोगी हांगा येवन जुवारी आनी मांडवी हातांत हात घालून अरबी समुद्रांत वतात तें पळोवन गेलीं. तांच्यो त्यो तरातरांच्यो लकबी, तांचें उलोवप पळोवन, आयकून हांव खळखळून हांसलें.

खडप : तूं भोंवडेक गेल्या उपरांत हांवें तांचीं दुकाय आयकल्यांत. तीं तुका सांगतना म्हज्या लेगीत दोळ्यांतल्यान दुकांच्यो झरी व्हांवल्यात. जाणां ल्हारा, पयलीं ह्या लोकांक पळोवन म्हाका अजाप दिसतालें. पूण उपरांत तांचें सूख, तांचें दुख हें आपलेंच दिसूंक लागलें म्हाका. तीं सगळीं मनशां म्हजींच अशें दिसता म्हाका.

ल्हार : म्हूणनच तांचे विनोद सांगत हांव तुका हांसोवपाचो यत्न करतालें. तरीय तूं आपलो मख्ख बसून रावतालो. सिरियस तोंड करून.

खडप : आगो म्हज्या नांवाक, म्हज्या सभावाक पाळो दिवंक म्हाका तशें रावचेंच पडटा. हे धर्तरेर हे लोक तयार जावंचे पयलीं आनी कोण आशिल्ले हांगा ! फकत तूं आनी हांव. तूं दर्यार सुकते वांगडा नाच जातालें. खंय खंय भोवपाक वतालें. हांव हांगा एकटोच. उलोवंक कोणूच मेळनाशिल्लो. दिसभर येवजीत बसप जातालें !

ल्हार : पूण तुजें एकटेपण गास्पार– पावलान पयस केलें काय ना ? तांच्यो तरांतरांच्यो गजाली आयकल्यात आसतल्यो न्हय तुवें ? हांव भोंवडी मारून आयलें काय सांगतालो पळय तूं म्हाका त्यो सगळ्यो !

खडप : हांवें एकान एक गजाल सांगल्या तुका. तुवें एकदांय आयकुनां तांची गजाल ? काय विसल्लें ?

ल्हार : एकदांच आयकल्ली. पूण तोच तांचो निमणो दीस आशिल्लो हें खबर नाशिल्लें म्हाका. हांव तुका तांचेच बिशीं कितेंतरी सांगूंक वतालें. इतल्यान ताणीं तुजेरूच उडी घेतली. अजून लेगीत म्हाका तो खीण, तो प्रसंग याद जाता. दोळ्यांमुखार येता.

खडप : आनी म्हाका तर तो प्रसंग कालूच घडिल्लेवरी दिसता. पावलाचो फुलासारको चेहरो दोळयांमुखार येता. गास्पारचें काळजाक भूल घालपी उलोवप अजून कानार पडटा. दोगांय त्या रुखामुळांत येवन बसल्यांत अशें दिसता...

(काळोख जाता. खडपान दाखयल्ल्या सुवातेर पावला आनी गास्पार बसून गजाली मारतात. दोगांयचोय इतिहासीक पोशाख. दर्याची गाज आनी चिवचिवप चालूच आसा.)

पावला : अशें कितें पळयता गास्पार ? पयलेच पावट देखता म्हाका ?

गास्पार : पावला, तुजें अशें म्होवाळ उलोवप आयकलें, लजप पळयलें कि हांव स्वताक शेणोवन बसतां. दोळयांमुखार तुकाच बसोवन तुजी पुजा करचीशी दिसता.

पावला : आनी तुजेविणें म्हाका जेवण-खाण रूचनां गास्पार. केन्ना तुका येवन भेटेनशें जाता. घराकडे सगळयाक नोकर चाकर भल्यात. सगळे पाडपडिल्ले आमचेरूच दोळो दवरून आसात. हांगाच, हे सुवातेर आमकां आमचीं काळजा उक्तीं करूंक मेळटात.

गास्पार : तुजेच खातीर सोदून काडल्या हांवें ही सुवात. जाणां पावला, आमीच हांगा पयले पावट येतात. नातर हांगच्यान सकयल नदर मारपाचें धाडसूच जावचेंना कोणाक. येदी व्हडलीं हीं ल्हारां ! कोणांक सपनांत लेगीत दिसचेंना कि आमी हांगा आसात म्हुण. म्हाका केन्ना केन्ना दिसता कि तुजें हांगा यादस्तीक उभारचें !

पावला : म्हजें यादस्तीक! (हांसत) मरचे पयलीं वो मेल्या उपरांत! यादस्तीक मेल्या उपरांतूच घडयतात पिशा !

गास्पार : थुमेकाल ! थुमेकाल पावला. म्हाका तुजें यादस्तीक बी कांयच नाका. म्हाका तूं जाय. म्हजेपयलीं तूं म्हाका सोडून वचत जाल्यार तुजें यादस्तीक उभारप सोडूच, तुजेबगर एक स्वास घेवप लेगीत कठीन जावन वतलें म्हाका.

पावला : आनी हांव तुजेविणें जगतलें अशें दिसता तुका ? जाणां गास्पार, काल म्हजो पापा म्हणटालो कि हांव आतां भुरगें ना. म्हजें भुरगेपण सोंपलें. तुजेवांगडा भोंवप, हांसप, खेळप आतां म्हाका सोबना म्हणटालो.

गास्पार : आनी कितें सोबना खंय तुका ? आमकां सगळें सोबता' मोगांत आनी झुंजात सगळें माफ आसता खंय ! पावला' केन्ना केन्ना म्हाका भंय दिसता. तुजो पापा तर आमकां आडखळ हाडचोंना मूं ?

पावला : ना. म्हजो पापा केन्नाच करचोंना अशें. म्हजो पापा खूप–खूप बरो तूं जाणा गास्पार, सगळे पुर्तूगेज गोंयकारांक सुण्यासारके लेखतात. पूण म्हजो पापा तुज्या पायक आपले वांगडचो मानता हांव ह्या घरांत एकटें पडत म्हण ल्हान-पणांसावन ताणें तुका म्हजो सवंगडी केलो.

गास्पार : भुरगेपण हें भुरगेपणूच आसता. भुरग्यांमदीं ल्हानपण-व्हडपण ह्यो भावना उरनांत. हे विचार येतात ते जाण्टे, पणांत. आमीं दोगांय खेळटालीं. एकठांय भोंवतालीं. पूण तूं एक गवर्नादोराची चली आनी हांव एका किल्लेदाराचो चलो असो फरक आमचेमदीं केन्नाच उप्रासलो ना. पूण म्हाका दिसता कि तेन्ना दर एक मनीस तुजेकडे आपल्या गवर्नादोराची चली म्हण पळयतालो आनी म्हाका किल्ले-दाराचो चलो म्हण. आनी ते विचार नकळटना तुज्या आनी म्हज्याय भितर रिगूंक लागल्यात. वरसां वाडत वतात तशीं आमच्यामदलें समानतायेच्या विचारांचें अंतरूय वाडत वतलें पावला.

पावला : ना गास्पार, जिविताच्या अंतामेरेन म्हज्या मनांत हे विचार येवंचेनात. तुवेंय हाडूंक फावनांत ते. आमचो मोग ल्हान न्हय. मागीर आमचेमदीं ल्हान–व्हड हो फरक कसो उरतलो ? सदांच तूं म्हजो प्रियकर–गास्पारूच उरतलो आनी हांव तुजी प्रियतमा पावला.

गास्पार : मोगा परस व्हड शक्त ह्या संवसारांत आसा पावला. जी आमकां वेगळावंक शकता. तुजो पापा गवर्नादोर आसा. ह्या गोंयचो गवर्नादोर जेराल. गोऱ्या पुर्तुगेजांचें आनी काळ्या गोंयकारांचें नातें केन्नाच जुळूंक शकना. गोरे पाखले आमकां गुलाम मानतात.

पावला : तुमी गुलाम न्हय. मनीस केन्नाच कोणाचो गुलाम जावंक शकना. दुसऱ्यांनी चलयल्लो शेक हो खिणापुरतो आसता. आपलो अधिकार आनी फोर्स आसा सर तो चलता. स्वतंत्र मनाचेर कोणूच शेक चलोवंक शकना. म्हजो पापा तुका केन्नाच गुलाम करूंक शकचोंना. ताजी शक्त आमचो मोग तोडूंक शकचीनां.

गास्पार : तुजें काळीज तितल्या धिरांचे म्हण तूं हें उलयता. पूण ह्या गोंयचेर शेक चलोवपी मनशाची शक्त म्हाका ना–नपयत करपायदी व्हड आसा.

पावला : तुजो म्हजेवेलो मोग कमी जायत वता काय तुज्या हड्ड्या-तली धमक ना जावन वता गास्पार ! हे गोंयचेर शेक चलोवपी जांव वो संवसाराचेर शेक चलोवपी जांव. तांचो शेक हे धर्तरेरूच चलतलो. ताचे भायर न्हय. तांच्या शेकाक बंधन आसा. आमच्या मोगाक बंधन ना. आमी खंयीय वचूंक शकतात. हे धारेपेल्यान लेगीत. आनी धारेपेल्यान शेक चलोवपाची शक्त गवर्नादोराकूच न्हय तर पातशाक लेगीत ना. तांचेर शेक चलोवपाची शक्त आमच्या मोगाक आसा. आमकां आसा.

० ० ०

(गवर्नादोराची पलास. गवर्नादोर आनी किल्लेदार डायस.)

गवर्नादोर : सिन्योर दायस, तुका हांयें कित्याक आपयला तें तुका खबर आहा ?

डायस : ना सायब !

गवर्नादोर : कितें ? ना ? इतले वेगीं विसल्लोय ?

डायस : ना सायब.

गवर्नादोर : म्हळचार तुका हांवें कित्याक आपयला तें तुका खबर आहा. सिन्योर दायस, सोगले पुर्तुगेज गोंयकारांक सेव्हेंतावरी लेखतात. हें तरी तुका खबर आहा ?

डायस : हय सायब.

गवर्नादोर : हांयें तुका फकत म्हजो किल्लेदार मानलोंना. म्हज्या घारांतलो मानलो.

डायस : हय सायब.

गवर्नादोर : तुजे चेडयाक, गास्पाराक भुरगेंपणांत सावन म्हुजे चलयें वांगडा वाडयलो. पावलाचो आमीग म्हुण. गोंयकारांक ओहलो रेस्पेद केन्ना कोणें दिला ?

डायस : ना सायब. तुमचे सारको व्हड काळजाचो गवर्नादोर आमकां मेळ्ळा हें आमचें भाग्य.

गवर्नादोर : म्हुणोनूच त्या व्हड काळजाचे कुडके करूंक लागल्यात तुमी. गास्पाराक म्हुज्या घारांत घेतलो, तो म्हुजे धुयेचो घरकार म्हुण न्हय. ताका पावलाचो भुरगेपणाचो सांगाती म्हुण दवल्लो तो जिविताचो सांगाती जावंक न्हय. भुरगेपणार ताजे लागीं खेळपाक दिलें म्हुणचे आतां तरणाटे पिरायेर ताजे लागीं ताणें मोगाचे खेळ मांडचे न्हय!

डायस : हांव जाणां सायब सगळें.

गवर्नादोर : (तापत) जाणां जाल्यार तुवें कितें केलां ? तुका काल सांगलेलें कि तुज्या गास्पाराक समजाय. म्हुजे धुयेक मेळोंक दी नाका. तरीय आसतना काल तीं भोवपाक गेलीं.

डायस : हांवें सांगलेले सायब. आयज परतून सांगतां. आनीक एक पावट समजायतां.

गवर्नादोर : सारकोच समजाय, जाणाय सिन्योर दायस, मुनशान आपली इस्काद चोवन पांय दवरचो. खुंय एका पुर्तुगेज गवर्नादोराची धूव आनी खंय एक गोंयकार सुणो ! तं म्हजो

एक बरो सेवॅत म्हुण दुसरे खेप सांगपाची कास्तीग घेहली हांयें. फाल्यां सकाळीं तुजो पून म्हाका गोंयात दिसपाचो ना. दिसलो जाल्यार ताका नाळयेच्या तोंडामुखार धरतले. ताका हांव गोंयांभायरो जावपाचो ख्यास्त फर्मायतां.

० ० ०

गास्पार : पापा, तूं गवर्नादोराकडल्यान आयला ?

डायस : हय पुता. तुका कोणें सांगलें ?

गास्पार : तुजें तोंड सांगता पापा.

डायस : गास्पार, पुता, सायबान...

गास्पार : म्हाका सगळें खबर आसा पापा. हांवें पावला पासून पयस वचूंक जाय. हांवें खूप यत्न केलो. पूण तें आमकां दोगांकूय शक्य ना. तुमींय प्रयत्न करूं नाकात.

डायस : आयज तुजे खातीर सायबान म्हजो अपमान केलो. तुका गोंयकार सुणो म्हळें ताणें.

गास्पार : आनी तुवें ओगीच रावन आयकलें ? एकधव्या पाखल्यान सगळ्या गोंयकारांक सुणो म्हळें आनी तुवें सोसलें ? आमी सुणे न्हय हें सांगूंक आवाज फुटलोंना तुका पापा ?

डायस : उपाशी पोटार आवाज येना पुता !

गास्पार : मागीर कोणेंय आमकां सुणो म्हणटकच अपमान कित्याक दिसूंक जाय ? जेन्ना आमी हिंदू धर्म बदलून ह्या लोकांच्या बळजबरेक लागून गळ्यांत दोरी बांदून घेतली तेन्नाच आमचो आवाज आमी पाखल्यांकडे घाणांक दवल्लो.

डायस : पुता, तुजें दुख्ख हांव समजतां. तूं म्हजो पूत देखून तुका घडटा तें दुख म्हाकाय भोगता. फाल्यां सूर्य उदेवचे पयलीं तुवें गोंय सोडलेंना जाल्यार तुका नाळयेच्या तोंडामुखार धरतले. हद्दपारीची ख्यास्त फर्मायल्या तुका. आनी तुका वचूंक जाय. म्हजेखातीर पुता; चल गास्पार, खंयीय सुखान राव.

गास्पार : वतां पापा, पुण वच्चे पयलीं पावलाचो निरोप घेना जाल्यार ताचेर अन्याय जातलो. निमणो स्वास सोडटनां लेगीत ताची परवानगी लागतली म्हाका. बरें पापा आदेयुश.

० ० ०

पावला : असो कितें बसला गास्पार ? कितें येवजीता ?

गास्पार : जणकाय तुका खबरूच ना. एका गवर्नादोराची चली तूं ! तुका कश्यो कळटल्यो म्हज्यो वेदना.

पावला : गास्पार, तूं केन्ना किल्लेदाराचो चलो अशें म्हाका दिसूंकच ना. मागीर हांव कोण हाची जाण म्हाका कशी आसतली?

गास्पार : आयज तुजे पापान म्हाका सुणो म्हळो. आनी फाल्यां सकाळी जर सूर्य उदेवचे पयलीं जर हांवें गोंय सोडलेंना तर म्हाका नाळयेच्या तोंडामुखार रावंचो पडटलो.

पावला : पूण तुजो गुन्यांव कसलो. ?

गास्पार : तुजेर मोग केला हो. पावला, ह्या राज्यांत कोण कोणाचेर मोग करूंक शकनांत. पुर्तुगालचीं धव्या पायांचीं धवीं मनशां हांगा येवन आमच्या काळजांचेर लेगीत शेक चलयतात.

पावला : मोग तुवें एकटयानूच केलोनां. हांवेंय केला तुजेर. हद्दपार तुका एकटयाकूच जावंचीनां. फाल्यां सकाळीं गवर्नादोराक दोन नाळी उजार करच्यो पडटल्यो.

गास्पार : पिशेपणां करूं नाका पावला. तूं ताजी चली.

पावला : म्हणूनच सांगतां. गास्पार, एक दीस सांगिल्लें तुका हांवें. मोगाक बंधना नासतात म्हण. म्हजो बापूय हे धर्तरेरूच शेक चलोवंक शकता. धारे पेल्यान न्हय. आमका हे धर्तरे-भायरूय सुवात आसा. आमचो देह हांगा हे धर्तरेर उरत. आमच्या मनांक, आमच्या मोगाक कोणूच आडावंक शकचोंना गास्पार, तूं खरेंच मोग करता म्हजेर ?

गास्पार : अशें विचारचे परस म्हजें काळीज पेंचून पळय. भितर दिसतलो तो पवित्र मोग.

पावला : गास्पार, फाल्यां तूं वेतकच तुज्यो यादी काडून काडून हांव सोंसन वेतलें. आनी तूंय म्हजो उगडास काडीत एक दीस सोंपतलो.

गास्पार : हय पावला. आमी एकमेकाचे यादीनूच सुकून सुकून मरतलीं.

पावला : अशीं एकमेकापासून पयस वचून मरचे परस दोगांय एकठांय कित्याक मरचीं न्हय ! हो सूर्य पळय, हो दर्या पळय. हें हांगचें खडप पळय. जांकां साक्षी दवरून आमी मोग केलो तो तांचेच साक्षीन अजरंवर करूया.

गास्पार : म्हळचार आमी जीव...

पावला : भिलो तू गास्पार ? खरो प्रियकर मरणांक केन्नाच भियेना. मोग केन्नाच मरनां. सकयल पळय गास्पार. तें एक खडप आसा, कितलें सुंदर. आनी तें ल्हार पळय. त्या खडपालागीं तें गजाली करता. आमचीच गजाल करता आसूंक जाय. ताणींच पळयला आमचो मोग. चल तांच्याच म्हऱ्यांत या आमी.

गास्पार : खरेंच पावला. चल यो, अशें वेंगेंत यो. आमी संवसाराक दाखोवन दिवया कि मोगाक बंधनां लागनांत, वर्ण लागनां, देसांदेसांतलें अंतर लागना.

पावला : चल. बेगीन या, म्हजे पापाक कळचे पयलींच आमी ह्या अंतराळांत विचर करूया. परींचीं पाखां लावन धारेपेल्यान उडुया.

(दर्याची व्हडली गाज. तातूंत 'गास्पार, पावला' अशी दोगांयनीय एकमेकाक मारिल्ली उल्याची धून मिसळटा.)

० ० ०

खडप : आगो, हें कितें करता ! म्हज्या दोळयांर उदकाचो पदर कित्याक ओडलो ?

ल्हार : म्हाका दिसलें तूं तांचेकडे पळयता. लज नाशिल्लो. खंयचे कडलो !

खडप : कोणाक ? हां, तांचेकडेन म्हणटालें ! ना गो बाये. तांचेर म्हजें शितिदूच वचूंक ना. हांव गास्पारची आनी पावलाची याद घोळयतालों. आनी तांकां पळयल्यार कितें जालें ? तीं कितें आंबटशौक करिनांत. काय बरीं सभ्यतायेन बसल्यांत पळय–ल्हारा, ह्या जोडप्याक पळोवन म्हज्या मनाक बेश्टेंच दिस्ंक लागलां कि पावला–गास्पारची पुनरावृत्ती जातली काय म्हण !

ल्हार : थुमेकाल ! ह्या दिसांनी तुका अभद्र उलोवपाचीच संवय लागल्या. तुका कोणाचो मोग फुलता तो पळोंव नज काय कितें ?

खडप : म्हज्यान पळोंव येता पूण हे नियतीच्यान पळोंव नज. तो तरनाटो आसा पळय तो दर एक उतर गास्पारचेंच उलयता. म्हणून म्हज्या मनांत आयलो तो विचार.

ल्हार : गास्पारचीं उतरां ! म्हळचार कसली ?

खडप : आयक. कान दिवन आयक.

० ० ०

(गास्पाराचे सुवातेर शिरिष आनी पावलाचे सुवातेर लिना)

शिरीष : हें कितें लिना ? अशें सुतकी तोंड करून बसलां ? इतलें वेळ बरें उलयतालें, हांसतालें. आतां अकस्मात सिरियस शें !

लिना : शिरिष, हांव सिरियस गजाली खातीरूच आयिल्लें. पूण तुका पळोवन सगळें विसल्लें. बाबान म्हाका सांगलां कि हांव जर तुजे वांगडा भोंवलें जाल्यार कॉलेजींतलें काडून घरा बसयतलें म्हण. ते खातीर हांव तुका आयज निमणें मेळूंक आयलां.

शिरिष : बापायन सांगलां तेंच सांगूंक तूं आयलां ? बापायक सांगूंक जमलेंना तुका कि हांव शिरिषाक सोडूंक शकना म्हण ?

लिना : ना शिरिष. मुखारूय जमचेंना म्हाका तें. हांव मनाची तयारी करतां पूण बाबाच्या तोंडाकडेन पळयतांच सगळो नेट

लटीक थरता. चल शिरिष, म्हजे पसून पयस वच.

शिरिष : पयस म्हण खंय ? तुजें पासून काय ह्या संवसारा पासून ?

लिना : तें हांव कशें सांगूं ?

शिरिष : हय लिना. म्हाका तुजे पासून पयस वचूंक जाय. तुका हांव गास्पारची, पावलाची काणी सांगतालों. तुवेंय म्हणिल्लें आमचो मोग हो तांच्या मोगा सारखोच शिम–मेर नाशिल्लो म्हण. मोगाखातीर जगपाचें, मोगाखातीर मरपाचें थारायल्लें आमी.

लिना : हय शिरिष. पूण हांव पावला जावंक शकना. म्हज्या बापायक तोडून हांव पयस वचूंक शकना. तांकां दुखोवन जर हांवें घर सोडलें, तुजेकडेन लग्न जालें जाल्यार ना हांव सुखी जातलें ना म्हजो बापूय. हांव कोणाकूच सुखी करूंक पावचेंना. तीन तोंकार तिगां उरतलीं आमी.

शिरिष : वच तूं लिना. वतना एक गजाल मात कर. हांवें सांगिल्ली पावलाची–गास्पारची काणी केन्नाच कोणांक सांगूं नाका. आपूण स्वताक पावला म्हणयतालें अशें केन्नाच कोणांक सांगू नाका. हांगच्या झाडांक, खडपांक–दर्याक साक्षी दवरून मोगाक बंधना नासतात अशें आपणें म्हणिल्लें अशें केन्ना कोणांक म्हणूं नाका. नातर कोणूच पावला–गास्पारचो मोग मानचेनांत. लिना, हांव गास्पारा सारको तुजेर मोग करतां अशें हांवें एकदां म्हणिल्लें तें हांगच्या ह्या झाडांनीं, खडपांनीं आयकलां. तुजे मोगाखातीर जर हांवें हद्दपारीची ख्यास्त भोगलीना तर तीं हांसतलीं म्हाका. हे धारेपेल्यान म्हाका वचूंकूच जाय. ह्या सकयल्या खडपाचेर, म्हजे रक्तान आनीक एका गास्पारची कथा म्हाका बरोवंक जाय. वच् तूं. आय विश यू हॅपी लायफ.

लिना : सॉरी शिरिष, हांव पावला जावंक शकना रे.

शिरिष : पूण म्हाका गास्पार जावंक जाय. हांव गास्पार जावंक शकतां. हांव गास्पार जालोंना जाल्यार हीं ल्हारां, हीं खडपां गास्पार-पावलाची काणीं विसरतलीं. तांकां ती याद करून दिवंक म्हाका गास्पार जावन हे धारेपेल्यान वचूंकच जाय.

(कडयावयल्यान सकयल उडी घेता. लिना किळांच मारता. 'ल्हारांतल्यान 'गास्पार- गास्पार' हो आवाज निर्माण जावन वाडत रावता.)

●

○ तरनाटो १.

○ तरनाटो २.

○ तरनाटो ३.

○ भिकारी

○ गिरेस्त

○ बायल

सवायभितर सर्गार...

माचयेर एक फांसाचो दोर हुमकळटा. सकयल एक स्टूल. ताजेर एक तरनाटो बसला. ताज्या हातांत एक रजिस्टर आसा. दुसरो तरनाटो हांगाथंय नदर मारून गिरायक पळयत आसा. माचयेर एक बोर्ड. 'सवायभितर सर्गार– फक्त पांच रुपयांत.'

तरनाटो २ : येयात, वेगी येयात. पांच रुपयांत सर्गार. फटाफट चलात. पांच रुपयांत... पांच रुपयांत.

तरनाटो १ : तुज्या ह्या आडुेवपाचो कितें उपेग जायत असो म्हाका दिसना. तुजो आडुेवन ताळो पट्टलो. पूण जाळाक गिरायक सांपडचेनां.

तरनाटो २ : तुका आनी थारूच ना. आरे, धंदो म्हुण कितें बेगीन जाता ! इतले दीस बेकार काडले तातूंत आनीक एक दीस. पळोवया तरी नशिबाची परीक्षा. पांच रुपयांत... पांच रुपयांत सर्गार...

तरनाटो १ : ही फकत आमचीं पिशेपणां. हांगा मरपाक रे कोण येतलो ! आनी आयलोय जाल्यार फुकटांत मरपाक सोदतलो.

तरनाटो २ : नक्कीच येतलो कोणतरी मरपाक. आरे पापया, लोक उबगल्यात रे जिविताक. पुराय जिवीत म्हळचार कटकटीचें जावन गेलां. आयज हें ना, फाल्यां तें ना. दुदाचो भाव देंवल्यार साकरेचो चडटा. वीख खावन जीव दितलो म्हळचार तेंय म्हारग. त्या परस हें पांच रुपयांचें मरण सोपें न्हय ! (पयस नदर मोखून) येता रे कोण तरी असो. (मोठचान) बेगीन येयात. पांच रुपयांत सर्गार.

तरनाटो १ : खरेंच येता ! पळोवया तरी ! येता तर खरो. पूण मरपाकूच येता हें कित्यावेल्यान ! वता आसतलो बाबडो खंयीय तोंड घेवन !

तरनाटो २ : खंयतरी न्हय. ज्युस्त सर्गार. आरे, ताजे कपडे पळय. तोंडावयलो भाव पळय. जिवाक उब्रगल्लो दिसता सामको.

तरनाटो १ : भेसावेल्यान पारखूं नाका. आमच्या ह्या सुजलाम् सुफलाम्

देशांतलो दर एकलो नागरीक असोच भेस करून भोंवता रे पिशा.

तरनाटो २ : आरे ताका मरणाचो वास मारता. शेर्त, तें आमचेंच गिरायक.

तरनाटो १ : तशें जाल्यार ह्यावें पांच रुपया घेवपाची तयारी करूंक हरकत ना तर ! जावं खूब दिसांनीं रायसप्लेट खावपाचो योग आयलो. देव पावलो म्हणपाचो.

तरनाटो २ : देव आशिल्लो जाल्यार आमकां हे असले धंदे करपाची गरज खंय आसपाची ? सर्गार धाडटात खंय आमी ! आरे सर्गार धाडप म्हळ्यार कितें गल्फाक धाडपाची एजन्सी रे ही आमची ! हें काम लोकांक फासार चडोवपाचें.

तरनाटो १ : सगळ्याचो अर्थ एकूच. पयलीं लोक समाधी घेताले. म्हळ्यार आत्महत्त्या करताले. आतां आमी लोकांक मुक्ती दितात. मरण म्हळ्यार पवित्र गजाल. तीच गजाल आमी तांकां दिवन ह्या दगदगांतल्यान तांची मुक्ती करतात.

तरनाटो २ : पूण दुसऱ्यांचो जीव घेवप म्हळ्यार ...

तरनाटो १ : आमी जीव घेनांत. आमी मनशाक मोक्ष दितात. आपलो जीव आपखोसयेन दिवप हो मनशाचो हक्क जावन आसा. तुजें तें मनीसपणाचें तत्वगिन्यान तुर्ताक कुशीन दवर आनी तें गिरायक खंय गेलां तें पळय...

तरनाटो २ : हें पळय पावलेंच. येयात... येयात बळीवेदीवेले आमी पाईक तुमचें स्वागत करतात.

(एक जिवाक उबगल्लो अस्ताव्यस्त कपडे घाल्लो तरनाटो येता.)

तरनाटो ३ : हांव ते वाटेन वता आसतना, हांगा कोणतरी आड्डेतालो. पांच रुपयांत...

तरनाटो १ : सर्गार व्हरपाखातीर एजन्सी घेतिल्ले आमीच ते. येयात बसात अशे. इतलें वेवस्थीत आनी सवाय काम तुमकां हेर कडेन खंयच मेळपाचें ना. कितें वचपाचें आसा काय ना ?

तरनाटो २ : आरे वचपाचें आसा म्हुण कितें विचारता ? वतलोच तो. मागीर गर्दी जायत जाल्यार बेश्टोच लायनीत रावचो पडटलो.

तरनाटो ३ : हय. म्हाका मरपाचें आसा. पयलीं हावें थारायल्लें मांडवीत वचून उडी मारपाची. मरण लेगीत कशें ल्हारांत घुसपून घुस्पून येवंचें. पूण थंय मरण येवपाचें ना. हरशी कोणाक कित्याकूच न पावपी मनीस ज्युस्त जीव वाटावंक पावता.

तरनाटो १ : सारकें उलयलो. जीव आपल्याचो आनी ताजें कितें करचें हें बेसबरें आमी जाणांत. पूण ह्या लोकांक सगळेंच लागता. नातर आमकां पळय ! आमी मुद्दम हें सोशलवर्क आपणायलां.

तरनाटो २ : हांव तुमकां सांगता न्हय मनशान कोणांक केर करिनासतना, आपल्याक जाय तशें जियेवंचें आनी जाय तशें मरचें. तुमी मरातूच. चलात झटपट तयारी करात. बऱ्या कार्याक कळाव नाका. बऱ्या म्हुर्तार मरप बरें. चला नांव रजिस्टर करात.

तरनाटो १ : (रजिस्टर घेत.) तुमचें नांव कितें सायब.

तरनाटो ३ : म्हज्या नांवाक आनी गावांक व्हडलेंशें म्हत्व ना.

तरनाटो २ : पूण आमी म्हत्व दितात.

तरनाटो १ : तुमी हो संवसार सोडून गेल्यात हाका आमीच गवाय उरतले. ही नांवां मागीर आमकां सरकाराक सबमीट करूंक जाय. कोणेय मागीर गैरवापर करूंक नाका.

तरनाटो ३ : गैरवापर कोण करतलो ? हांगा हांव जितो आसतना कोणांक गरज ना. मागीर नांवाची कितें गरज !

तरनाटो २ : तीच तर खरी गरज. तूं जितो आसा सर तुका एक तुजें स्वताचें अशें मत आसा. पूण तूं सोंपलो म्हण्टकच तुजें मत कोणेंय वापरूं येता. तुजें नांव हावें वापरून, दुडू घेवन कोणाकूय मत मारूं येता.

तरनाटो ३ : ताजो म्हजेर कितें परिणाम जातलो ? जाल्यार तुमचोच फायदो जावंदी.

तरनाटो २ : हो फायदो न्हय. हो अनर्थ. आरे तुज्या बोगस मतदानान भलतोच मनीस निवडून येतलो. तें न घडपाखातीर तुज्या वांगडाच तुजें नांवूय हे धर्तरेवयल्यान पुसून उडोवंक जाय.

तरनाटो १ : शिवाय ह्या देशांतली लोकसंख्या उणी जावंक तुजो मोलाचो हातभार लागतलो.

तरनाटो २ : तुजें नांव इतिहासांत अजरवंर जातलें.

तरनाटो १ : तुजें नांव भांगराच्या अक्षरांनी बरयतले. सांग बेगीन तुजें नांव. शिवाय ह्या फांसाचें उदघाटन करपाचोय मान तुका फाव जातलो. दरएक गजालीचें उक्तावण करपाचो मान हो फुडाऱ्यांचोच म्हणपाची गजाल फट थारावपाचो चान्स पळय तुका आयतोच मेळ्ळा. सांग नांव. बिगिनींग वीथ सरनेम.

तरनाटो ३ : नांव कित्याक जाय तें !

तरनाटो २ : इतलेंय रामायण सांगूनय रामाची सिता कोण ? हें पळयात. हें जगूच रजिस्टराचें. तुमी जल्म घेतला हाका म्हत्व ना. नांव रजिस्टर करप गरजेचें. नातर तो गुन्याव थरता. ही पळय हांगा गर्दी वाडूंक लागल्या. कतारमें खडे हो जाव... लायन करो... (इतले मजगती एक गिरेस्त, एक बायल मनीस, एक भिकारी अशी गर्दी जाता.) हो कोण रे ? हांगाय भीक मागता ? चल फूट हांगच्यान. हांगा तुका मरणाचीय भीक मेळचीना.

भिकारी : (रागान) हय हांव भिकारो. पूण हांव मरणां भीक मागोंक येवना. हक्काचें मरण घेवंक येयलां. दुडू घेवन.

तरनाटो १ : पुरो... पुरो. शाणपणां नाका. लायणींत राव.

गिरेस्त : भिकाऱ्यांक लेगीत पाखां फुटल्यांत आतां.

बायल : पाखां फुटपाचो अधिकार फकत तुमकां गिरेस्तांकूच आसा. दुसऱ्यांनी वयर सरिल्लें पळोंव नज तुमच्यानी.

तरनाटो २ : बोवाळ नाका हांगा. झगडपाचें आसल्यार दुसरेकडे वचून झगडात. चल तुजें नांव सांग.

तरनाटो ३ : राजेंद्र राव.

तरनाटो २ : कितें ?

तरनाटो ३ : राव.

तरनाटो २ : कित्याक राव ?

तरनाटो ३ : म्हजें आडनांव राव.

तरनाटो २ : तशें सांग सारकें. तिडकता कित्याक ? बापायचें नांव सांग.

तरनाटो ३ : बापायन जल्माक घालो आनी ताजी गरज सोंपली. आतां हांगा मरतना...

तरनाटो १ : बापूय जायच बापायचें नांव नासतना नांवाक सोबाय येना. तशें पळोवंक गेल्यार आपणाचो बापूय कोण हें कोणांकूच खबर नासता. तरी आवय दाखयता ताकाच आमी बापूय म्हुण विस्वास दवरतात.

तरनाटो ३ : हांव नांव सांगतलों तोच म्हजो बापूय हाचेर तुमी कसो विस्वास दवरतले ?

तरनाटो २ : हांगा आमकां बापूय नाका. फक्त नांव जाय.

तरनाटो ३ : तशें जाल्यार धर खंयचेंय. तुमकां बरोवंक सोपें पडटा तसलें. सखाराम, राजाराम, तुकाराम खंयचेंय घाल्यार उपकारता.

तरनाटो २ : आडनांव !

तरनाटो ३ : आडनांव मात हावें ताका विचाल्लेंना. बाकीचें सगळें विचाल्लें. (माथें खरपिता.)

गिरेस्त : आरे पोरा माथें कितें खरपिता ? तकली खरपून कितें बोडांतली अक्कल भायर सरता ? कसली बाबा ही आयची संसत ! बापायक लेगोत वळखना. आरे पोरा, जें तुजें आडनांव तेंच तुज्या बापायचें आसूंक नाका ?

तरनाटो ३ : यस्. यूवर रायट. थँन्क्यू. हांव विसरूनच गेल्लों.

गिरेस्त : तूं कितलें शिकला रे !

तरनाटो ३ : हावें फिलॉसॉफित पि. एच्. डी. केल्या.

गिरेस्त : म्हणूनच तूं जीव दिता. आनी तुमचे सारके भुरगे जल्माक येतात म्हुण आमच्या सारख्या बापायक जीव दिवंचो पडटा. आमच्यांक आनी पळयनांत ! मारतात फोलगां गाडयो घेवन. धंदचार लक्ष दी म्हुण सांगल्यार जल्माक कित्याक घाला धदो करूंक काय म्हुण विचारतात.

तरनाटो ३ : कापाजदादीचे भुरगे. आमी सांगतात काय कितें तुमकां, आमकां जल्माक घालात म्हुण. मरतना लेगीत कटकट ह्या जाण्टयांची.

तरनाटो २ : तुमी मरतना लेगीत शांतपणान, खुशालकायेन मरूंक शकनांत ? (गिरेस्ताक) तुमी कित्याक मदीं पडटात ! तुमचो नंबर येतकच तुमी उलयात. (बरयत) नांव राव राजेंद्र सखाराम. पिराय ?

तरनाटो ३ : आसतलीं सत्तरेक.

तरनाटो २ : बापायचीं न्हय. तुजीं.

तरनाटो ३ : पंचवीस.

बायल : ह्या देशांत हें कितें चल्लां ! पंचवीस वर्सांचे पिरायेर जीव दिवपाची पाळी ह्या देशांतल्या तरनाटयांचेर आयली ?

तरनाटो १ : हे भारतीय नारी, आमकां उपकार करून वावर करूंदी. मदीं मदीं उलोवन वेळ होगडावं नाकात. म्हाका भूक लागल्या.

तरनाटो २ : धंदो, नोकरी बी...

तरनाटो ३ : चड शिकलां म्हणून नोकरी मेळना. तेन्ना हो निर्णय घेतलो. धंदो करूंक भांडवल मेळना. म्हजेखातीर स्युअर टी रावंक कोण तयार ना. सगळ्या परस जिवित सोंपोवप होच बरो उपाय. मरतना बी कितें त्रास जाता त रे ?

तरनाटो १ : आमकांय ताचो अणभव ना. पूण बेकार राबून जिनले क्लेश भोगतात ताचेपरस खुबूच कमी आसतले. तसो तूं निबू

नाका. आमी ज्युस्ताक ज्युस्त करतात. तूं ह्या स्टुलार उबो राव.

(स्टुलार उबो दवरून गळयांत फास घालता.)

तरनाटो २ : तुजी निमाणी इत्सा बी कितें आसा ?

तरनाटो ३ : जिवो आसा सर कसलीच इत्सा भागलीना आनी आतां मरतना आनी कसली ? एक प्रार्थना तितली आसा. दुसऱ्या जल्माक मात रोखडीच नोकरी मेळची.

तरनाटो १ : ते खातीर आमी प्रयत्न करीन. चल जा तयार.

तरनाटो ३ : आनीक एक गजाल... ताका सांगात की मरतना लेगीत म्हज्या मनात तुजोच उगडास आशिल्लो.

बायल : तें कोण ? ताज्या खातीर तूं जीव दिता ?

तरनाटो ३ : ना. ताज्या खातीर न्हय. नोकरी ना म्हुण दितां. नोकरी आशिल्ली जाल्यार तेंय दोळे धापून येवपाचें. पूण हांव बेकार म्हुण बापूय तयार नाशिल्लो लग्न करूंक.

तरनाटो २ : ह्या सगळ्या बापायक फांसार चडोवंक जाय.

गिरेस्त : कित्याक तुमचें साधना म्हुण ! तुमकां जोडपाची अक्कल ना. स्वताचें पोट भरूंक येना ते आमच्या धुवांचेंकितें भरतले ?

तरनाटो ३ : हांव प्रेम करतालों ताजेर.

गिरेस्त : नोकरी मेळना म्हणटकच प्रेमूच करपाचें तुमी. संवसारांत प्रेम करून पोट भरना. बायलेक पोसूंक शकनांत वेल्यान बापायक दुशणां ?

बायल : आमकां सुखान संवसार करूं येता. तुमकां बापायक दिसता कि आमकां संवसार करपाची अक्कल ना. आमकां दुख्खात लेगीत सुख मानूक कळटा.

तरनाटो १ : बायल आसा थंय झगडीं–झुंजा आसाच. चलात, तोंड बंद करून लायन करात.

भिकारी : तेंका झगडों थंय. तेसर म्हाका आवयार करात. कितलोवेळ तोंड धापून तिश्ठता हांव हयसर. आमचें म्हणोन कोणाक पडलेलेंन्न ना. आयज म्हाजो नुम्र.

तरनाटो २ : तूं वचून फाटीं राव पळोवया मात्सो. तुजो नंबर येतकच सांगता तुका. बेश्टोच मायज उलोंव नाका.

भिकारी : हांव उलयल्यार मायज ! कित्याक तर हांव भिकाड्डो ! तुमी सगळे दुडवांकार. हांव वेदोळ सावन ओगी आसां. एक जाप काडल्यार मात सगळे शेडायता. संवसारांत सदीं तुमचोच नुम्र. आमी सदांच फाटीं. आयज हांव पयलू मरपी. मरोंक तरी भिकाऱ्यान पयलो नुम्र घेतलो म्हणोन तरी भिकारी समाजाचें नांव वयर सरोंदी.

तरनाटो १ : तूंय उलोवंक शिकलो ! सरकारी बामण जाल्ल्यावरी येदी व्हडली जीब काडून उलयता. वच फाटीं. भिकारी खंयचो !

भिकारी : हांव भिकारी म्हणोन कितें मनीस न्हूं ! जातना सगले भिकारीच आसता. आंगार घालूंक तेजेकडे लगटाची फाळी लेगीत नासता.

तरनाटो ३ : तूं भिकारी जावन लेगीत फिलॉसॉफी उलयता ! तू मनीस खरो. पूण तुजेकडे दुडू आसात ?

भिकारी : पयसो आसुनय भीक मागपा इतलो मनान भिकाड्डो न्हू हांव.

तरनाटो ३ : मागीर वच. पयसो कर. कसो करचो हाका बंधना ना. भीक माग, चोरयो-मारयो कर, हाका-ताका नागय. स्मगलींग कर. पूण पयसो कर. पयसो आसतकच तुवें मनीसूच रावंक जाय अशें न्हय. धुकरपसून आसल्यार उपकारता. सगळे तुका सलाम मारतले.

भिकारी : म्हाका नाका तो दुडू. म्हाका दुडू जावो तो पोट भरूंक. ह्या तुमच्या दुडवांच्या संवसारांत म्हाका रावपाचें ना. म्हाका सर्गारूच वचोंक जायें अशेंय काय ना. हांगच्यान बेगीन वचोंक मेळटा जाल्यार हांव नरकांत लेगीत वचपी.

(फांसाकडे वता)

तरनाटो २ : तुजी मरणावेली आवड, उमळशीक, संवसारावेली तिडक

सगळें होलमता म्हाका सर्गार वचपाची उमळशीक दाखोवन, आमच्या धंद्यार दाखयल्ल्या प्रेमाबद्दल धन्यवाद. पूण घाई करून जाता? आमचो संवसार हो 'क्यू' चो संवसार. चल लायनीत राव.

भिकारी : पूण शेड्यूल कास्टांक बी काय सवलती ना हांगा.

गिरेस्त : भिकारी जावन लेगीत इंग्लेज उलयता पळय. म्हार–चांबार म्हणपाक लज दिसता. शेड्यूल कास्ट खंय शेड्यूल कास्ट !

तरनाटो १ : हीं उतरां तांचेखातीर मांयभाशेंतली उतरां जाल्यांत. परत परत कानार पडून संवय जाताच न्हय ! हें पळय सायबा, शेड्यूल कास्टा ! हें सरकारी ऑफीस न्हय. हांगा कसलोच वशिलो लागपाचो ना. तरीपुण तुजें काम जावं येतालें. पूण तूं असो. आसूं. निमाणेवेळार तुका कित्याक दुखोंव ! जाग्यार राव आनी वाट पळय.

बायल : (त. ३ क) चलयेंची गजाल सांग न्हय !

तरनाटो १ : चली. चली. चली. खरें म्हळ्यार चलयोच खरी वाट लायतात. चली, बायल ही गजाल नाशिल्ली जाल्यार ही पाळी कोणाचेर येवपाची ?

बायल : दादल्यांचो कायच वाटो नासतना... ? म्हजी ही अवतिकाय कोणे केली ? कोणाक लागून हांव हे धडेर पावलें ? कित्याक लागून हांव आत्महत्त्या करतां ?

तरनाटो १ : तुमी चुकिचें उतर वापरतात. ही आत्महत्त्या न्हय. महानिर्वाण हें. हांगा फक्त सर्गार वचपाचो सुवाळो घडटा. आरे बाबा, चल तो फास घाल गळ्यांत (तरनाटो ३ तशें करता.)

तरनाटो २ : पूण ताणें फी दिवंक ना. आरे बाबा, हांगाय सुतां घालप ? तूं सर्गार पावतकच आमची फी कोण दितलो ? हें कितें कुयटाक वचपाचें समजला रे येतकच पयशे मेळटले समकज् ! चल काड पांच रुपया. ही घे पावती.

तरनाटो ३ : पावती खंय सर्गार व्हरूं ! घे हे पयशे, दवर सगळे.

तरनाटो १ : चल तयार जा. तुजी निमणी इत्सा तशी व्हडलीशी न्हय. तूं तृप्त जावन वच. आतां तो फास गळ्याक घाल. (तो तशें करता. तरनाटो १ पायां पोंदचें स्टूल काडूंक वता.)

तरनाटो २ : मात्सो राव. (तरनाटो १ मात्सो कुशीक व्हरून ल्हवूच) तुवें केन्ना फाशी वतल्या मनशाक पळयला ?

तरनाटो १ : ना. कित्याक ?

तरनाटो २ : फास आवुळटकच दोळे-जीब भायर येतात म्हण्टा. तशें जालें आनी हे सगळे भिवून पळून गेले जाल्यार ! त्यापरस सगळ्यांचीं फी घेवन एका फाटाफाट फांसार चडोवया. मागीर पळून गेलो कोणय तर हरकत ना. नो रिफंड.

तरनाटो १ : हाजो विचार हावें करूंकच नाशिल्लो. (स्टुला कडेन वचून) सकयल देंव.

तरनाटो ३ : आतां आनी कितें उल्लां ? हावें तर पयशे दिले.

तरनाटो १ : पूण हेरांनी खंय दिल्यात ?

तरनाटो ३ : तांचेय हावें दिवप काय कितें ?

तरनाटो २ : सगळ्यांचीं फी घेतलेबगर सर्गार धाडपाच्या वावराक सुरवात करप ना अशें आमी आतांच कमिटी डिसिजन घेतलां. देंव सकयल.

तरनाटो ३ : पूण म्हाका रावपाक वेळ ना.

तरनाटो १ : वेळ नासत जाल्यार घे हे पयशे आनी लाग चलूंक. दितलो पांच रुपया आनी नेट दाखयता लाख दिल्ल्याचे.

तरनाटो २ : आरे गिरायकाकडे अशें वागपाचें नासता. असल्यांनी तूं धंदो बसयतलो. पात्रांव मात्सो राव. वचून वचून तुका खंय सर्गारूच वचपाचें आसा मूं ! ताजेमुखार काय न्हय. मागीर थोडो थार धर. एकदां गेलो म्हणटकच परतून थोडोच येतलो.

(तरनाटो ३ एका कोनशाक वचून सिगरेट ओडीत रावता.)

तरनाटो १ : आतां कशें जालें. निमणें एक सिगार ओडून घे. फुडलो नंबर कोणाचो ! चलात फी हातांत घेवन तयार रावात. पूण ऐकदां फारीक केल्ली फी परत मेळचिनां. नो रिफंड.

गिरेस्त : (मुखार सरत) आतां हांव. त्या चल्याफाटल्यान हांवच हांगा आयिल्लों. म्हजें नांव दत्ताराम रामकृष्ण काणकोणकार. उर्फ भाऊ सायब.

तरनाटो २ : सुसेगाद. सवकासायेन. हांव विचारतकच सांग.

गिरेस्त : आफसुलाद. तूं कालचो पोर म्हजें नांव विचारपी जालां ? आनी म्हजें नांव विचारप सोबता तुमकां ? लोकांच्या कानाकानार म्हजें नांव आसा. तरीय हावें तें आपूण जावन तुमकां सांगलें. खरें म्हळचार म्हाका पळयल्या बराबर तुवें नांव बरोवन घेवपाचें. भाऊ सायबाचें नांव कोणाक खबर ना ?

तरनाटो १ : आमकां खबर ना.

गिरेस्त : हो अपमान म्हजो. ह्या गोयांत धा–बारा देवळां हांवें बांदल्यांत. सगळ्या संस्थांक हांव देणगी दितां. हांगा सगळ्यांत चड व्हडलो धंदो म्हजो आसा. कितल्यातरी लोकांक हावें पोटाक लायल्यात.

तरनाटो ३ : हांव अजून बेकार आसतना तुमी बडायो कित्याक मारतात ?

तरनाटो २ : आमच्या सारख्यांक तुमी नोकरेक लायिल्ले जाल्यार आमचेर ही पाळी कित्याक येवपाची ? ह्यो व्हडपणाच्यो गजाली हांगा नाकात. हांगा सगळे समान. हो दोर पळय हांगा हुमकळटा, तो समानतेचें प्रतीक. हाजेवेल्यान तुमी वयर वतले. हो बेकार भुरगोय वतलो. हो भिकारीय वतलो आनी ती बायलूय वतली. खऱ्या अर्थान समानता म्हळचार हीच. चल काड पयशे.

गिरेस्त : कितले ते ? फक्त पांच रुपया न्हय !

तरनाटो १ : हांगाय दुडवांचो नेट ! पांचूच रुपया. तो बोर्ड दिसना?

गिरेस्त : शंबरांचो मोड आसा ?

तरनाटो २: शंबरांची नोट कशी आसता तीच केन्ना पळोवंक ना जल्मांत. आनी मरूंक भायर सरतना लेगीत तुमच्या सारख्यांकडेन शंबरांच्यो नोटी ! मोडचे पांच रुपया काड.

भिकारी : हांव हयसर येवंचे पयलूं हेज्यामुखार हात केल्लो. तेणें म्हाका हीच नोट दाखोवन मोड ना म्हणोन सांगलेली. तीच नोट ती. हायें ज्युस्त वळखलीना !

गिरेस्त : शंबरांच्यो सगळयो नोटी एक सारख्योच दिसतात. घे हे शंबर रुपया. पांच रुपया तुजे काड. धा पयशें त्या भिकाऱ्याक घाल. म्हजें बरें मागूंक जाय अं तुवें. नातर धा पयशे बोल्सांत घालून ओगी बसशी !

तरनाटो २ : आतां मोड खयची हाडूं ?

गिरेस्त : तूंच दवर उरिल्ले पयशे. टीप म्हणून. नातर हांव सर्गार गेल्या उपरांत तुमी काडटलेच ते म्हज्या बोलसां ाले.

भिकारी : टीप म्हणोन तुमीं कितलेय पयशे दिता. आनी भीक मात धा पयशांची.

गिरेस्त : तुजीं आतां सुबेजपणा नाकात. पांच रुपया तुमची फी काडात आनी उरिल्ले ह्या भिकाऱ्याक घालात रे. (भिकाऱ्याक) आतां तरी जालो सातिश्वेत ! ते पयशे घे आनी म्हज-खातीर बरें माग.

भिकारी : पांच रुपया काडल्यार कितले उल्ले ! णव्वद आनी पांच रुपय ! खरेंच तुमी म्हाका इतले दुडू दिले ?

गिरेस्त : हय. तुकाच दिल्यात हावें. मार फोल्ग. पूण सर्गांत म्हाका सूख मेळचें म्हूण प्रार्थना कर.

भिकारी : णव्वद आनी पांच रुपयांची प्रार्थना कितें बेगीन जाता ? तेका खुप वेळ जावो. हायें तर आतां सर्गार वचपाचें थारायलेलें.

गिरेस्त : आतां म्हज्यावांगडा वचपाची गरज ना. हे सोपतकच वच सवकसायेन.

भिकारी : हय. तशेंच करतां. हे दुडू व्हरोन आतांच बायलेक दितां. सकाळीं भायर सरतना तिका सांगलेलें हावें कितेंय हाडटां म्हणोन. दिसभर हेडलों पूण कांयच पडलेंना. भुरग्यांचीं भुकेलेलीं तोंडा पळोवचे परस जीव दिवप बरें म्हणोन हांगा येयलों. पूण बायले भुरग्यांवेलो जीव वचना.

तरनाटो ३ : तुका बायल–भुरगीं आसात ? एका भिकाऱ्याक संवसार आसता ?

भिकारी : भिकारी म्हणोन कितें मनीस न्हू ? असोच भीक मागतां मागतां ती वाटेर दोडली. तिय भीक मागताली. दोगांय मोगांत पडलीं. आतां दोन–चार भुरगीं आहा. सुखान चल्ला संवसार. पूण आतां सगळी म्हारगाय. लोक पांच–धा पयशे उडयता ते पावोंच ना. दी ते शंबर रुपया आनी हे दोन रुपया दवर तितलेच आसले म्हाजेकडेन. उल्लेले रोकडेच घेवन येतां.

तरनाटो २ : पूण तुगेलें सर्गार वचप ?

भिकारी : जायो कोणाक तो सर्ग ! म्हाजो सर्ग ते फुटपायरेचेरूच जंय म्हागेली बायल–भुरगीं आसा. ह्या रुपयांनी धा–पंदरा दीस सुखान वयतले. मरण काय केन्ना चुकना. पूण संवसारांत मेळ्ळचा ते दीस सारतां जमता तशे. वयतां हांव. देव बरें करूं.

तरनाटो १ : म्हजे तीन रुपया !

भिकारी : हाडटां मोड मेळत जाल्यार ते परस तुमी ते म्हाका भीक म्हणोन कित्याक दिवन उडय ना ? तितलेंच पूण्य तुमकां. धंद्याक बरे दीस येवं म्हुण मागन हांव.

(पयशे घेवन ताकतिकेन वता.)

तरनाटो २ : (कपलार हात मारून) गेलो. वतना आमकां भिकेक लावन गेलो. तुवें होगडायलें म्हजें एक गिरायक. शिवाय तुजो सारको गिरेस्त फक्त दोन रुपयांक पडलो म्हाका. उरिल्ले पयशे कोण दितला आतां ?

बायल : हांव दितां. पूण ताका दुशण दिवं नाका. ताका घरा आयिल्लो पळोवन ताच्या बायल भुरग्यांक कितली खोस जातली !

तरनाटो ३ : तुका इतलो कळवळो कित्याक आयलो ताजो ?

तरनाटो १ : लागता आसतलो कोणूय ?

बायल : म्हजे सगळेंचजाण कोण तरी लागताच. तूं न्हय म्हजो ! हो गिरेस्तमनीस हांगा आसा तो न्हय म्हजो ! हांव म्हळ्चार निर्मितीचें रूप. म्हाकाच लागून ही सृष्ट निर्माण जाल्या. तरीय म्हाका हे असले दशेक पावोवपाक मूळ कारण कोण ? तुमीच न्हय ! अशें आसतना हांव जीव कित्याक दितां हें तुमी विचाल्लें म्हाका ?

तरनाटो ३ : दुसऱ्य चे भानगडींत कित्याक पडचें आमी ?

बायल : हें तूं उलयता ? जाचेर तूं प्रेम करतालो तें तुज्या रक्ताचें न्हय वा नात्याचें. तें परकी चली आसुनय तूं कित्याक निर्शेलो. ताजें आपणें कित्याक लावन घेवंचें अशें कित्याक म्हळेंना !

तरनाटो ३ : ती बंधना प्रेमाचीं.

बायल : तुका नोकरी ना म्हुण बापायचें आयकून तुका सोडपी चलयेकडे कसलीं बंधनां ? तुज्या सुखाचो विचार ताणें केलोच ना. होच न्हय ताजो अर्थ !

तरनाटो ३ : (ओग्गी).

बायल : आतां ओगी कित्याक ? नातर म्हाका पळय. तुज्या सारख्या शंबरेक जाणांक हावें सूख दिलां. तांकां सुखी करपांतूच म्हजे जिवीत सल्लें. ह्या मुखार तांकां सूख दिवप शक्य ना म्हुण हांव जीव दितां. पूण जे म्हाका भोगून गेले, रोग लावन गेले ताणीं एकदां तरी म्हजी चौकशी केल्या ?

तरनाटो ३ : म्हणजे तूं...

बायल : हय. हांव चेडी. जातासर हावें तुज्या सारख्यांक सूख दिलें. हांव पयशे घेतालें. पूण तें शरिराचें मोल म्हुण न्हय. म्हाका

दुडू जाय आशिल्ले ते पोट भरूंक. तूं चलीमनीस आशिल्लो जाल्यार तेंच करपाचो.

तरनाटो २ : उपकार करून तुमचें डिसकशन बंद करात. तुमी अशीं चकाटां माल्ल्यार आमी कितें करपाचें ? तूं चल. नांव रजिस्टर कर.

बायल : राधा म्हण्टात म्हाका. म्हज्या नांवाक लागून लोक म्हजेसरी येता अशें म्हाका दिसतालें. पूण सगळे येताले शरिराक लागून. आतां शरीर इबाडलां तसो फुकटो लेगीत येना.

तरनाटो ३ : तुज्या नांवाक, तुज्या दर उलोवणाक अर्थ आसा. तुजें नांव हांगा रजिस्टर करपाचें गरज ना. चल या आमी हांगच्यान.

बायल : आतां तुका म्हजेपासून कांयच फायदो ना. खिणभराच्या सुखाखातीर जर तुका दुयेंसा आपणावपाचीं आसात तर म्हजी हरकत ना.

तरनाटो ३ : म्हाका तूं हेरांतलो समजू नाका. हांव तुका दोतोराकडे व्हरतां. हांव निर्मितीचें रूप केन्ना अर्थहीन जावंक दिवंचोना. तशें जालें जाल्यार हांवें फिलॉसॉफीचो अभ्यास केला हें सांगपाची म्हजी लायकी ना. चल या आमी हांगच्यान. सर्गार वचपांत कसलोच अर्थ ना. आमी हांगा धर्तरेरूच सर्ग निर्माण करूया.

गिरेस्त : तुमी दोगांयनीय निर्णय बदल्लो ?

बायल : ह्या तरनाट्याचान पयलीं घेतिल्ल्या निर्णयापरस आतां घेतिल्लो निर्णय लाखमोलाचो आसा. ताणें ह्या निर्णयान तत्वगिन्यानाक जिवीत दिलें.

तरनाटो २ : तुमी सर्गार वचनांत आतां.

तरनाटो ३ : ह्या जिवितापरस सर्ग आनी वेगळो खंयचो आसतलो ? हांव हांगा कित्याक आयलों ? हें हांगा कित्याक आयलें. आमच्या जिवितान कसो पळय अकस्मात मोड घेतलो. ह्या सुख-दुखाकूच सर्ग म्हणटात.

बायल : चल या आमी.

गिरेस्त : तुमी म्हजेवांगडा येयात. हांव म्हज्या फर्मात तुमकां नोकरी दितां.

तरनाटो ३ : आमची काकूट येवन.

गिरेस्त : ना. पूण तुमचें उलोवगें आयकून म्हजें मत बदल्लें. हांव सर्गार वचून गरजेभायर म्हजें हें भांगरासारकें जिवीत होगडावपाचों. खरें म्हळ्यार भुरग्यांची तवनासपणा पळोवन हांव मरूंक सोदतालों. पूण तो भिकारी जियेवंक सोदता. तुमीय मरूंक सोदिनांत. मागीर म्हजेकडे इतलें आसतना हांवेंच कित्याक मरचें ? चल या.

तरनाटो २ : आरे, तुमी आमचो धंदो बसयलो. तुमी खंय वतात... मातशें आयकात तरी... (सगळीं वतात.) गेलीं. एकान एक गेलीं. कोणेतरी ब्रोंणी करून वच्चें आसलें. पयल्याच दिसा एका पयश्याचो फायदो जालो ना. तरी बरें हे दोन रुपया उल्ले.

तरनाटो १ : त्या भिकाऱ्याची भीक ती. तोच आमकां भिकेक लावन गेलो.

तरनाटो २ : आतां भिकाऱ्याच्या नांवान बेश्टीच बोब मारपाची. भिकारी कितें आनी गिरेस्त कितें ! तत्वगिन्यानी कितें आनी चेडी कितें ! मरणाक कोणूच तयार जायना. आमकांच पळय आतां जगपाखातीर आमी कसलीं कसलीं फितिसां करतात ते. खरें म्हळ्यार आमची कसलीच गरज ना ह्या संवसारांत. तरी आसतना जियेवपाखातीर हो धंदो सुरू केलो आमी.

तरनाटो १ : पूण म्हाका ना आस जगपाची. म्हाका दिसना जीवन सुंदर आसतशें. हे असले त्रास आनी उपद्रे काडचे परस मरण बरें. ह्या झंजाळांतल्यान तरी मुक्त जातले.

तरनाटो २ : इतलो जर मरणाक आशेला जाल्यार रावता कोणा-

खातीर ! हो पळय फांस आसाच. तुज्या मरणान जावंदी ताचें उक्तावण. आसा कापाजदाद ? ना.

तरनाटो १ : हय. आसा. हांवच करपी उक्तावण. पळय.

तरनाटो २ : मागीर फाटीं सरशीत !

तरनाटो १ : केन्नाच ना. हो पळय वतां.

(वचून स्टुलार उबो रावता. फांस गळयांत घालता.)

तरनाटो २ : मागीर पश्चताप करशी.

तरनाटो १ : नांच करपी.

तरनाटो २ : हांव फकाणा करीना. हें पळय स्टूल काडटां.

तरनाटो १ : हांव फास आवुळटां. काड तूं स्टुल.

(दुसरो स्टुल काडटा.)

आरे, आरे तुवें खरेंच स्टुल काडलें ? दवर... दवर तें पांयांपोंदा. सकयल देंवय म्हाका. म्हाका मरपाचें ना. तूं फकाणां करता अशें दिसलें म्हाका. (फासाक धरता.) म्हाका मरपाचें ना...

(आवाज बंद जायत वता. तरनाटो २ ताजेर एक नदर भोंवडायता. हातांतले पयशे मेजून पळयता. बोल्सांत घालता. स्टुल घेवन वता. तरनाटो १ फांसार हुमकळत उरता.)

○ सोल्दाद

○ सोल्जर

○ कमांडर

जैत

गोंयच्या सिमेवयलें No Mans Land, पड्डो उगडटा तेन्नां माचयेर पयस अशें दिसता एक कांटेरी कुंपण. थंयच्यान दोग जाण चलत चलत प्रेक्षकांचे वाटेन येतात. हे दोग जाण सैनीक. एक पराजीत. जाका आमीं ' सोल्जर ' म्हणुया. दुसरो जेतो. हाका सोल्दाद म्हणूंक हरकत ना. हो काळ १९६१ चो जेन्ना वासाल द सिल्वान हत्यार सकयल दवरिल्लो तो.

सोल्दादान सोल्जरचे हात घट्ट दोरयेन बांदल्यात. ताका तो ओडीत–ओडीत व्हरता. दोगूय चलून थकल्यात म्हणपाचें कळटा. सोल्दाद जेतो आशिल्ल्या कारणान ताजे भितर जैताचो नेट दिश्टी पडटा. सोल्जराची आनीक चलपाची इत्सा ना. दोगूय चलतात. सोल्जर अकस्मात बेसावध जाल्ल्या सोल्दादाचेर झडप घालता. दोगांयचीय लटाफट जाता. सोल्दाद, सोल्जराक येतीश्ट पेट्टा आनी जमनीर पातळायता. उप्रांत आपली उदकाची बाटली काडून एक घोंट उदक पिता. सोल्जराकडे पळयता. ताची हालचाल ना ती पळोवन ताका खोंटेनूच उदारो करता.

सोल्दाद : यू फकींग बास्टर्ड, फिल्य् द पूत... घे हें उदक.

(ताज्या तोंडांत उदकाचो थेंब ओतता. सोल्जर तो थुकून उडयता.)

उदकय नाका ? मागीर मर. बास्टर्ड !

सोल्जर : हांव तुका तेंच सांगतां. फॉर द सेक ऑफ गॉड. कील मी.

सोल्दाद : तुका मारपाचो आसलो जाल्यार इतलो वगत तुका इतली कास्नीग काडून हांगामेरे हाडचोनासलों.

सोल्जर : म्हज्यान आनीक चलूंक नज. हांव थकलां.

सोल्दाद : ब्लडी इंडियान सोल्जर. एक मेत्र लेगीत चलोंत जाल्यार थकता ! फिल्य् द पूत ! मिलितारीत क्रित्याक भितर सरतात ? कॉमॉन मेक अ मूव !

(ताका फरफरीत ओडून एका रूखाम्हन्यांत व्हरता.)

बस. रेस्त घे थोडें.

(दोगूय बसतात. सोल्दाद सोल्जराकडे पळयता आनी ताका निरखीत.)
आतां पिशेपणां केल्यांत तशीं आनीक करूं नाका. तुका मार लागनां जायत. पूण हांव तुका मारून थकतां. आनीक म्हाका खूप चलपाचें आसा. तुका सांगाताक घेवन.

सोल्जर : तूं एकटो आसत जाल्यार बेगीन चलूंक शकतलो. म्हाका मारून उडय आनी झपाझप चल हांगच्यान.

सोल्दाद : हांव तुकाच घेवन झपाझप चलतलों.

सोल्जर : तुजो हातूंत फायदो कितें सोल्दादा ! हांव म्हळचार कितें बोकडो न्हय. जाका मारून तूं खातलो ! जांव तुज्या सायबाक प्रेजेन्ट करतलो.

सोल्दाद : (हांसत) हय. हांव तुकाच साग्वाद म्हुण सायबाक भेटोवपी.

सोल्जर : मागीर तुका म्हाका फरफटत व्हरचो पडटलो. म्हज्यान आतां मातलेगीत चलूंक जायना.

सोल्दाद : तुका बोफिशाद म्हजे फाटल्यान चलचें पट्टलें.

सोल्जर : हांव चलचोंना.

सोल्दाद : एकेक खोंटेक तुका एकेक पावल मारूंक लायतलों. तुका मरूंक दिनाआसतना हांव टॉर्चर करून चलपाक फोर्सार करतलों. ते परस मोन्यानी चलप बरें. चल ! उठ !

(सोल्जर उठपाचो यत्न करता. पूण शरीर तेंको दिना. सकयल कोसळटा. वोंठाचेर जीब भोंवडावन आंवडो घोट्टा आनी तसोच पडून रावता. सोल्दाद उठ्टा. बाटली घेवन ताज्या म्हऱ्यांत वता.

सोल्दाद : घे. एक घोंट मार. उदक तें. इंडियन उदक. वीख न्हय.

सोल्जर : इंडियन उदकान तुमकां आयज-वेर जिवीत दिलां. पूण म्हाका तुजे हातचें उदक नाका. हांव उदकाविणें तानेन तडफडत मरप पसंद करीन.

सोल्दाद : (ताजी फाट थापटीत.) आमीग ! घे एक घोंट घे. उदक

नासतना कितें जाता हें म्हाका खबर आसा. घे. हॅव अ सीप. मनीसपण आसा म्हुज्यांत.

सोल्जर : मनीसपण न्हय हें. हें चुचकारप. म्हाका बरेंपण दाखोवन चलपाक लावपाचो येत्न हो. एकदां म्हाका हेड क्वार्टराचेर व्हरून कमांडराच्या हातान सोंपयलो की तुजें काम सोंपलें. तूं इनाम घेवंक मेकळो मागीर ! तुजो आनी मनीसपणाचो संबंध कितें ?

सोल्दाद : म्हजे सुवातेर तू आसल्यार कितें करपाचो ?

सोल्जर : तूं आतां जें कितें करता ताज्या डबल करपाचों !

सोल्दाद : (हांसत) आनी तरीय तूं म्हणटा की म्हाका मनीसपण ना ! आमीग, घे घोंट मार. थोडो सुसेग घेवन मागीर चलया.

सोल्जर : उदक थोडेंच उल्लां. तुका जाय पडटलें. आनी म्हाका दिसना खंय उदक मेळत शें.

सोल्दाद : वाटेर मेळटलें खंय तरी. तूं चिंता करूं नाका.

सोल्जर : तूं तानेन तडफडटलो. वळवळून मरतलो.

सोल्दाद : तुजेंय तेंच जातलें. मागीर तूं म्हाका उदकाकडे व्हरतलो हें जाणां हांव.

सोल्जर : हांव व्हरचोंना. तुज्या कमांडराच्या हाताक पडून मरचे बदला, वा बंदखणीत कुसचे बदला हांव उदका-पाण्या विणें तडफडत मरन. कश्ट सोसचे बदला मरण वेंगायन हांव.

सोल्दाद : एका सोल्जराकडल्यान हीं उतरां ?
(हांसता) कास्तीग सोसपाची नासल्यार आर्मींत कित्याक भितर सल्लो ?

सोल्जर : मारूंक अथवा मरूंक. तुका मारूंक म्हाका संद जाय आशिल्ली. ती घेतली पूण शक्य जालेंना. आतां मरूंक सोदतां. तूं गूळी घाल म्हाका.

सोल्दाद : इंदियान सोल्जर मरणाची भीक मागता ? काकूट.

सोल्जर : म्हजी काकूट करपाची गरज ना. आनी इंडियन सोल्जर

म्हूण मनीसपण सोडून जर तूं म्हजी परीक्षा पळयता जाल्यार हांव कितलेय कश्ट सोसूंक तयार आसां.

सोल्दाद : आतां कसो इंगळो कसो फुल्लो ! हांव जर तुजे सुवातेर आसलो जाल्यार तूं म्हाकाय हेंच करपाचो काय ना ?

सोल्जर : तुमी आमकां गुलाम करून शेक चलयलो. तातुंतल्यान मुक्ती मेळोवपाखातीर तुमी आमचेर केल्ल्या अत्त्याचाराचें पानवळ हांव निश्चित भोगयतलों आसलों तुमकां.

सोल्दाद : हांवूय तेंच करतां.

सोल्जर : ही भूंय तुजी न्हय.

सोल्दाद : तुजी तरी ही भूंय खंय आसा ? तुका ऑर्द आयली ऑपरेशनाची. ती पाळूंक तूं हांगा आयलो.

सोल्जर : हांव भारतीय. हें गोंय भारताचो कुडको.

सोल्दाद : ही जाणविकाय तुका आतांच आयली काय पयलीं सावन आशिल्ली !

सोल्जर : सोल्जरांक जाणविकाय आसून फावना. सोल्जराक जाणविकाय आसता हुकूमाची. हुकूम आयलो काय आमकां प्राण लेगीत दिवंचो पडटा.

सोल्दाद : ऑपरेशनाची ऑर्द येवंक नासली जाल्यार ही भूंय स्वतंत्र ना हाची याद तरी येवपाची तुका ?

सोल्जर : (ओगी.)

सोल्दाद : जाप दी.

सोल्जर : प्रस्नूच असो विचाल्ला...

सोल्दाद : जाचो जापूच कुम्पलीकाद आसा न्हय !
(हांसता.) आमीग, आमची दोगांयचीय जात एक. तुजी कात काळी. म्हजी धवी पूण जात एक. डू ऑर डाय. हांवे तुका धरूंक नाशिल्लो जाल्यार तूं म्हाका धरपाचो. कदाचीत मारपाचोय.

सोल्जर : तुका खबर आसा तें !

सोल्दाद : तूं म्हाका असोच कास्तीग दिवपाचो. तुका उदक जाय काय नाका ?

सोल्जर : दुसऱ्या खातीर पोशिल्लो बोकडो हांव. उदक पिवून फायदो किते ?

सोल्दाद : तुका तान लागूंक ना ?

सोल्जर : लागल्या. पूण उदक घेवन हो जीव कित्याक तारूं ? तुमचे बंदखणीत कश्ट काडून मरचे परस हेच भूंयेर प्राण सोडिल्ले बरे.

सोल्दाद : निर्शेलो ?

सोल्जर : ना. निर्शेणी भारतीय सैनिकाक नासता. आसतात ते जिखपाचे हावेस. म्हाका थोडी लेगीत संद मेळत जाल्यार हांव तुज्या कैदेंतल्यान सुटपाचो यत्न करतलों.

सोल्दाद : तेच खातीर तुका हांव असो बांदून व्हरतां. तुका सुटपाक कसोच चान्स दिवपाचो ना हांव.

सोल्जर : हांवेय तुजेकडल्यान वेगळी अपेक्षा बाळगूंक ना. मनशाक गुलाम करपाच्या वृत्तीचे तुमी. तुमकां स्वातंत्र्य म्हळचार किते कळटलें ?

सोल्दाद : घे. दोन थेंब ताळचार घे. तुका उलयतना त्रास जाता. ताळो सुकला तुजो.

सोल्जर : अशा वेळार तुवें तो आवळून उडयल्यारूय चलता.

सोल्दाद : तुका चलपाक शक्त येतली. आनीक आमकां कितलें चलपाचें आसा देवाक खबर !

सोल्जर : तूं देवाक मानता ?

सोल्दाद : हय. जिजस क्रायस्ट. (आंजेलस करता.) तोच आमकां तारता. तोच आमकां जैत दिता. ताणेंच तुका म्हजे सुवादीन केला. नातर हे बॉर्डरीचेर भीतर सरतना तूं म्हाका मारूनच भीतर सरपाचो.

सोल्जर : फाटलीं तीन चार वरां एका मनशाक वताच्या कडार जनावरा सारको बांदून व्हरपाची बुद्द त्याच मनशाच्या पुतान तुज्या मनात रिगयल्या आसतली !

सोल्दाद : दुस्मानाक खांदार मारून व्हरचे अशेंय ताणें सांगूक ना. घे उदक पी.

सोल्जर : म्हाका नाका. तुका ताजी मुखार गरज लागतली.

सोल्दाद : फुडलें फुडें पळोवया. सोल्जरा, हांव जरी तुमचो दुस्मान आसलों आनी तूं जरी म्हजो दुस्मान जालो तरी आमी मनीस...

सोल्जर : हात बांदून व्हरपी...

सोल्दाद : तूं म्हजो कैदी. (कमरेची उदकाची बाटली काडून ताज्या तोंडाक लायता.)

सोल्जर : उदकाचे थेंब गळोंव नाका. हे अशे सुवातेर उदक मेळना. आयज जर तूं तुज्या ठाण्यार पावलोंना जाल्यार उदकाविणे मरतलो तूं.

सोल्दाद : म्हाका स्राप दिता ?

सोल्जर : ना. फॅक्ट सांगतां. ही जमीन पळय. हांगा लागसार उदक मेळत अशें म्हाका दिसना. मनीस हुद्दो, मान घेतलेविणे जियेतलो. पूण उदकाविणे मरतलो. ताका उदक जायच. मागीर ती जमीन कोणाच्याय अधिकारांत आसूं तुज्या वो म्हज्या. (उठत) चल या. नातर मागीर कळाव जातलो.

सोल्दाद : इतली ताकतीक ? बेगीन पावपाक तूं घराकडेन वचना तुज्या. मरणाच्या दारांत वता.

सोल्जर : हांव म्हजें मरण म्हज्या सांगाताक घेवन आयिल्लों आसा. आमी जेन्ना झुंजामळार वचूंक भायर सरतात तेन्ना आवय–बायल–भयण सगळीं आमच्या माथ्याक पिंजर लावन आमचे भोंवतणी आरती हुंवाळटात. तोच मोग घेवन आमी झुंजतात. पूण त्या मोगाची याद जावन, जीव वाटोवन तांकां मेळपाक गेले तर तीच आमकां घराचीं दारां बंद करतात. होच आमचो देशाचो अजरंवर इतिहास.

(दोगूय मोन्यानी चलतात. कांय वेळान)

सोल्दाद : तुजें काजार जालां ?

सोल्जर : हय. दोगां भुरगींय आसात.

सोल्दाद : खूप ल्हान आसतलीं न्हय !

सोल्जर : एकटो पांच वर्साचो आनी चली वर्साचें.

सोल्दाद : तुजें कितेंय जायत जाल्यार तांचें कितें जातलें ?

सोल्जर : कांय जावंचेना. कांय वर्सांनी म्हजो चलोय मिलिटरीत जॉयन जातलो.

सोल्दाद : आवय वचूंक दितली ? जिचो घोव जे वाटेन गेला...

सोल्जर : तेच वाटेन आपल्या पुताकय वचूंक दितली. (हांसत) तुवें भारतीयांक पुराय ओळखूंक ना. सोल्दादा, आमचो इतिहासूच जोहार आनी त्यागान भल्ला. हांव ह्या झुंजात सोंपलो जाल्यार म्हजी बायल खंती जावचीना. ती कश्ट काडून पुताक वाडयतली. आनी फौंजी करतली.

सोल्दाद : मरपाक ! ग्रॉन्ड.

सोल्जर : हाका मरण म्हणनात आमी. अमर जावप म्हणटात. अजरंवर जावप. तुजें लग्न जावंक ना आसुये.

सोल्दाद : ना.

सोल्जर : मागीर चिंता ना. तूं मेलो जाल्यार तुका रडपी कोण ना.

सोल्दाद : म्हजो साक्रामेंत जाला.

सोल्जर : म्हणटकच बंधनात पडूनच झुंजामळार देंवला तर तूं ! काळजाक दोरी बांदून कोणाच्या तरी हातांत दिवनच हांगा आयलां ! ही दोरी तुटली जाल्यार त्या पोराचें कितें जातलें ?

सोल्दाद : कांयच जावंचें ना. तें म्हजेकडे विस्त लावन रावतलें. हावें ताका येता म्हुण प्रामिस केलां. हें झुंज सोंपतलें. तुमकां इंदयानांक डिफिट करून हांव वतलों. ताका, म्हज्या मोगाक मेळटलों.

सोल्जर : सपनां तुजीं हीं ! असलीं सपनां आमी फळादीक जावंक दिवंचेनांत. गोंय हो भारताचो कुडको. ताजेवेलो तुमचो अन्यायी अधिकार चड काळ तिगचोना.

सोल्दाद : आमची सत्ता गोंयचेर उल्लीना जाल्यार आमचो कमांडर गोंयचो लासून इबाड करतलो.

सोल्जर : हींच ती तुमचीं भिकाड्डी सपनां. जी वस्त आपली न्हय, जी आपुण निर्माण करूंक शकना ती नश्ट करपाचे तुमचे हावेस पळोवन, तुमची काकळूट करप तितली थोडी.

सोल्दाद : (हांसता) आमची काकूट ! काकूट तुमची. आतां ह्या खिणाक तुजी. आमीग, गोंय स्वतंत्र जालें तरी तूं जावपाचो ना. तूं सारो तेप कुसतलो लिस्बोवाच्या प्रेजावांत.

सोल्जर : तें काळ थारायतलो. तूं आनी हांव तर ह्या काळाच्या हातांतलीं बावलीं. काळ नाचयता तशीं फकत आमी नाचपाचें. कितलो वेळ चलपाचें उल्लां आतां ?

सोल्दाद : आमचें पयलें क्वार्तेल पावमेरेन !

सोल्जर : पूण येन्नादर आमी कशे पावलेना ? तूं वाट चुकला आसतलो !

सोल्दाद : म्हाकाय तशेंच दिसता.

सोल्जर : मागोर कोणाकूय विचारून घे. खबर नाशिल्ले दिकेन कितलो वेळ मेरेन तूं म्हाका रपेट करूंक लायतलो ?

सोल्दाद : कोणाक विचारपाचें ? आमी दोग सोडले जाल्यार तिसरो कोण आसा हांगा ?

सोल्जर : (हांसत) हांगाच रात काडुया आता. नांतर दिशाहीन जावन हांगाथंय रातभर धांवत रावुया.

सोल्दाद : हावें दीसभर कांयच खावंक ना. भूक लागल्या सामकी.

सोल्जर : म्हणूनच तुका हांव वेदोळ सांगतालों म्हज्या बॅगांतले पाव भायर उडोवं नाका म्हण. पूण तुका दिसलें कि हात्रें तातूंत वीख घालां. आतां तुज्या हातांतल्या ह्या बंदुकींतल्यो गुळयो खा.

सोल्दाद : तूंय उपाशीं मरतलो म्हज्या सांगाताक.

सोल्जर : तुमचे बंदखणींत कुसचे परस हांगा म्हज्या देशाचे भुंयेर उपाशी मरप आवडतलें म्हाका.

सोल्दाद : तसो तुका हांव गुळी घालुनय मारूंक शकतां. पूण म्हजें कितें जातलें !

सोल्जर : म्हाका मार आनी म्हजेंच मास खायत राव. दोन–चार दीस पावतलो तुका हांव.

सोल्दाद : म्हुजो जीव वाटोवंक तेंय करपीं हांव ! एकल्याक जिवो रावतलो जाल्यार दुमऱ्याक काबार करूंक जाय. आतां वेळ पावला हायें जिवो रावपाचो...

सोल्जर : (हांसत हांसत बसता) कांय वेळा पयलीं ब्रेवरीच्यो गजाली सांगतालो. सोल्दादा, आतां खंय गेलो तुजो तो देश ? आतां तुज्या मनात उप्रासला तो फक्त भंय. मरणाचो भंय.

सोल्दाद : हांव भियेनां. हें म्हुजें पयलेंच झूंज न्हय.

सोल्जर : आनी म्हजेंय न्हय. हावें मनाची तयारी केल्या. कित्याक हांव तुजो कैदी. तूं जिखला. तुज्या मनांत जितो रावपाची आस उदेल्या. जितो रावून तुका तुजे घरा वचपाचें आसा.

सोल्दाद : तुका वचपाचें ना ? तुजी घरकान्न तुजी वाट पळोवपाची ना ?

सोल्जर : ना कित्याक म्हणूं ? कित्याक फटोवं हांव म्हाका ? नाका जाल्ल्यो शौर्याच्यो वल्गना दाखोवन कित्याक करूं हांव मनातले मायेचे पास खिळखिळे ? पूण म्हजे घरकान्नीक खबर आसा हांव झुंजाक गेला म्हण ! तिकाय खबर आसा म्हजें परतून येवप कठीन म्हुण. जाणां सोल्दादा हांव बरे भशेन घरा परतलों जाल्यार ती खोसयेन भुरकुटतली.

सोल्दाद : म्हुजेंय जुआना म्हुजी वाट पळयतलें. हायें ताका येतलों म्हुण प्रामिस केलां. तें वाट पोयत रावतलें म्हुजी. माय स्वीट जुआना !

सोल्जर : याद येता ? (हांसत) सोल्दादा, हो मोग म्हळ्यार एक पिसो भोग. आमचें काळीज फातराचें आसून लेगीत मोगाचो विशय येतकच सामकें विरगळटा. आमी आयज मेरेन कितल्या लोकांक हे जमनीच्या अधिकाराखातीर मारून उडयले. आनी ते वेळार आमी चुकून लेगीत येवजिलेंना की हांचो कोण तरी मायेचो मनीस वाट पळोवपी आसा.

सोल्दाद : आमी सोल्जर. आमकां काळीज आसूंक फावनां. तूं म्हाका घुसपावंक सोदता. चल उठ. या आमी.

सोल्जर : हांव तुका घुसपायना. तूंच घुसपला. तूं आतां भिला. ह्या सुक्या सडयार तुका रात काडची पडटली म्हण. तूं जाता तितलो बेगीन हे सुवातेवेल्यान कडसरूंक सोदता. पूण आमी वाट चुकल्यात हें तुका खबर ना.

सोल्दाद : म्हाका खबर आहा.

सोल्जर : खबर आसा जाल्यार खरे वाटेन म्हाका जाता तितले बेगीन घेवन वच.

सोल्दाद : ती म्हाका खबर ना. आमी वाट चुकल्यात तितलेंच हांव जाणां.

सोल्जर : आतां रोकडीच रात जातली आनी हे भुंयेर रानटी जनावरांचें राज सुरू जातलें हें तुका खबर आसतलें.
(पयसुल्यान कोले रडटात.)

सोल्दाद : हय. हे पळय आतां कोलेय कुले घालूंक लागले. आनी हांगच्यो राती सामक्यो तेरीफीक म्हण हांव जाणां.

सोल्जर : हय. दोळ्यांत बोटां घाली तरी वेता मुखावेलें दिसपाचें ना.

सोल्दाद : (तापून) हें सगलें जाणां जाल्यार तूं वाट कित्याक दाखयना ?

सोल्जर : तुजी वाट म्हाका खंय खबर आसा ?

सोल्दाद : तूं म्हुजी फकाणां करता आतां. तुवें म्हाका आतां रस्तो दाखोवंक जाय. तूं हें भुंयेतलो.

सोल्जर : तरी पूण तुवें म्हाका खंय हाडला तें खबर ना. सिमेवयलो धरून हांगा मेरेन म्हाका हाडपी तूंच. आतां तूंच म्हाका जाय थंय घेवन वच.

सोल्दाद : तुका वाट खबर आसा. तूं हे मातयेंतलो. आमी आतां खंय आसात हाची जाणविकाय तुका आसतलीच !

सोल्जर : ना. हांव हे भुंयेर पयलेच फावट पावल दवरतां.

सोल्दाद : तशें जाल्यार तुका हे मातयेची इतली ओड कित्याक ?

सोल्जर : तूं तर हांगच्यान कितले तरी पयस आशिल्ले सुवातेवेलो. तरी आसतना तूं हांगा आसा. कित्याखातीर? फकत कर्तव्याखातीर. तुका मेळिल्ल्या हुकूमाक पाळो दिवंच्या खातीर. तुजें शरीर हांगा आनी मन आपले भुंयेर. पूण म्हजें मन हेच भुंयेर आसा. म्हाका म्हजे देशाचो हो कुडको तुमच्या चोपक्यांतल्यान मुक्त करपाचो आसा.

(एका फातराचेर वचून बसता.)

सोल्दाद : तूं तुजे भुंयेखातीर लडटा. तुज्या बावटचा खातीर लडटा. आनी हांव ! (हांसता) हांव झगडटां नोकरी म्हण. सिर्व्हीस, फक्त सिर्व्हीस. ब्लडी फक.

(पयसुल्ल्यान कोल्यांचो आनी हेर जनवरांच्या रडपाचो, हुयेल्यांचो आवाज.)

कसलीं कसलीं जनवरां आसात ह्या रानांत ?

सोल्जर : हे आतां रडटात ते कोले आनी लांडगे. तशे हांगा वाग, सिंव आनी हत्तीय आसात. हांगचे चित्तेय तशे भिरांकूळ. पळोवंक ल्हान दिसतात पूण पांच मिण्टांभितर मनशाची गोमटी फोडून ताका वयर पावयतात.

(सोल्दाद सोल्जरा म्हऱ्यांत येता.)

सोल्दाद : तुजे हात सोडटा हांव. खूप वेळ जालो बांधलेले आसात ते.

सोल्जर : ताजो कांयच फायदो जावपाचो ना. तुजेर लांडग्यान लेगीत उडी माल्ल्यार हांव तुका वाचोवंक शकचोंना. भूक आनी तानेक लागून म्हजी शक्त गेल्या सगळी.

सोल्दाद : म्हजेलागीं पिस्तोल आसा. म्हाका भिरांत दिसना. पूण इतलो वोगोत तुका असो बांदून दवरप मनीसपणां भायलें दिसता म्हाका.

सोल्जर : रानांत पडटकच राकेस जाता अशी एक म्हणणी आसा. पूण हांगा तूं रानांत पडटकच मनीस जालो.

सोल्दाद : (दोऱ्या सोडीत) आमी सगळे मुनीस. जसो तूं तसो हांव. पूण हो फार्द आमकां वेगळो करता... तूं इंदयान आनी हांव

भायलो हें हो फार्द थारायता. भितर आमी एक.

सोल्जर : आमी आतां कितें करूंक जाय हें तुवें सांगलेंना.

सोल्दाद : आमकां ह्या रानांतल्यान भायर सरपाक जाय. तूं वाट दाखय. नातर आमी उपाशीं मरतले.

सोल्जर : हांव कसोयतरी मरतलोंच. मागीर चिंता कित्याक ? हांव मरतलों हें जाणां जावनूच सैन्यांत भितर सल्लां.

सोल्दाद : झुंजताना मरप बरें. अशें न्हुय.

सोल्जर : मागीर तूं म्हाका प्रिजनांत व्हरून कुसोवन मारूंक सोदता ?

सोल्दाद : ती म्हुजी ड्युटी, म्हाका तीं करूंक जाय.

सोल्जर : आनी दुस्मानाक आदार करप ना ही म्हजी ड्युटी. चल दोगूय हांगाच मरूया.

सोल्दाद : म्हाका मरपाचें ना.

सोल्जर : म्हाका खबर आसा तें. तुका बरेभशेन घरा वचपाचें आसा. तुजें जुआना तुजी वाट पळयतलें.

सोल्दाद : तुजी घरकान्न तुजी वाट पळोवंचीना ?

सोल्जर : तुजें तर आजून लग्न जावचेंच आसा. म्हाका भुरगीं आसात दोगां. तीं चड हुस्को करतलीं !

सोल्दाद : तशें जाल्यार आमी दोगूय या हांगच्यान. हांव म्हज्या घरा वयतां. तूं तुज्या घरा वच.

सोल्जर : (हांसत) पूण म्हजी बायल म्हाका घरांत घेवपाची ना. झुंजातल्यान पळून येवप्याक आमी लोक घरांत घेनांत. झुंजात मरपी सैनिकाचें मडें अभिमानान घेतले. पळून येवप्याक भायर धांवडायतले.

सोल्दाद : यस्. कित्याक ही भूंय तुमची. म्हजी हे भुयेंकडें कसलीच लागणूक ना. हांव फक्त भाडयाचो मनीस. दुडू मेळटा म्हण झुंजपाक आयलां. पूण कितें करता ताजेविशीं मोग मनांत ना.

सोल्जर : तुजो मोग आसा तुज्या गावांत. समजता म्हाका तें.

सोल्दाद : येस्. हांव वतलों. म्हज्या मोगाक मेळटर

सोल्जर : म्हज्या सारख्या दुस्मान मित्राचीय गजाल सांग तिका.

सोल्दाद : तुजो आद्रेस दी म्हाका. तुज्याय घरच्यांक मेळटां हांव. म्हाकाय ब्रेव लेडी आनी ब्रेव फामील पळोवंक जाय.

सोल्जर : म्हजी डेडबॉडी घेवन तूंच वच.

सोल्दाद : तुका आमचो सरकार मारचोंना.

सोल्जर : बंदखणीची ख्यास्त दितलो. हालहाल करतलो म्हजे. त्या परस मरण बरें. तूं मारून उडय म्हाका.

सोल्दाद : ना. हांव मारींना. तूं बरो मनीस !

सोल्जर : हांव दुस्मान तुजो. दुस्मानाची काकूट करूंक फावना हें झूंज जैताचें. हांव जिखतलों जाल्यार तुका हावें मारचेंच पडटलें.

सोल्दाद : तुका काळीज जावंचेंना. जे सर मनीस एकमेकाक वळखना ते सर तो दुस्मान आसूं येता. वळखतकच दुस्मानकाय उरना. आतां बरोच तार्द जाला आसतलो न्हय ?

सोल्जर : हय आतां रातचीं धा जावन गेल्यांत आसतलीं. हे रातची वाट खंय सोदप हें तूंच पळय.

सोल्दाद : आमकां हांगाच रात काडची पडटली पूण हांगा जनावरां...

सोल्जर : हांगा बस असो. लागीं बस. न्हिदल्यारूय जाता. हांव जागो रावतां.

सोल्दाद : मागीर म्हाका जितो मारूंक तुका आयतोच चान्स. तूं न्हीद. हांव रावतां जागो. म्हजेकडें हें पिस्तोल आसा.

सोल्जर : नाका. दोगूय जागेच रावया. उजवाड पडटकच मुखावयली वाट चलुया.

सोल्दाद : पूण तुका हांव खंय व्हरतां हें खबर आसा न्हय.

सोल्जर : हय. मरणाच्या दाराकडेन. सोल्दादा– तूं चिंता करूं नाका. तुजी ड्युटी कर तूं. आमी जरी मनीस आसले तरी वेग-वेगळचा राष्ट्रांचे सैनिक आसात. सैनिकांचीं तत्वां आमकां पाळपाचीं आसात. हांव तुजो कैदी. म्हजें कितें करपाचें तें तू थाराय. पूण एक गजाल मतींत धर. म्हाका संद मेळटांच

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000416

हांव तुका कैदी करतलों.

सोल्दाद : (हांसत) हांव जाणां तें ! म्हणोन हांव तुका पातयेंना. म्हाका हारलों हेजें दुख्ख नासतलें. पूण म्हाका जिखपाक जाय तें जुआना खातीर. हांव जिखलोंना जाल्यार तेका केन्नाच मेळोंक शकचोना.

सोल्जर : कितलो सुवार्थी तूं ! ना तर म्हाका पळय. पळून वचपाची संद मेळटा आसतनाय हांव तत्वांखातीर तुजो कैदी म्हण रावलां.

सोल्दाद : तूं चिंता करी नाका. हांव तुज्या घरा वतलों. तुजी खबर हांव तेंकां सांगतलों. तुका सोडपाखातीर हांव कमांडरालागीं उतर घालतलों !

सोल्जर : म्हाका तुजी भीक नाका. तूं जैतिवंत जावन तुज्या घारा वच. लग्न जा. म्हजें लग्न देशाचे सुटकेकडें जाल्लें आसा.

सोल्दाद : तूं केदो व्हडलो, इंदयान सोल्जर केदे व्हडले तें हांव जुआनाक सांगपी.

सोल्जर : तुका आनी तुज्या जुआनाक म्हजे आशिर्वाद आसात.

(पयसुल्ल्यान कसलो तरी आवाज जाता.)

सोल्दाद : कोणतरी येता. कसलें तरी जनावर आसतलें.

सोल्जर : कोलो जावं लांडगो आसतलो !

सोल्दाद : वागूय आसूं येता.

सोल्जर : तुज्या पिस्तोलांत गुळयो कितल्यो आसात ?

सोल्दाद : मॅगजीन भल्लेलें आसा. करूं फायरींग ?

सोल्जर : नाका. कितें तें जाणा जाल्या बगर फायरींग करूं नाका. कसलें जनावर तें पळोवन मागीरूच फार मार. जर ताणें हल्लो केलो जाल्यारूच !

(सोल्दाद पिस्तोल काडून सावधानेन पळयता)

सोल्दाद : आतां आवाज बंद जालो. म्हाका दिसता गेलें आसतलें भिवून !

सोल्जर : तशेंय म्हणूं नाका. कदाचीत दबो धरून रावलां आसतलें.

(दोगूय कानोसो घेतात.)

सोल्दाद : टार्च आसल्यार बरें जावपाचें.

सोल्जर : म्हजेकडे आशिल्लो तो तुवें लटाफटींत भायर उडयलो. आतां पिकासावं करून उपेग कितें ? कोण तरी लागीं येता सो दिसता.

सोल्दाद : कोण तरी मनीसच आसतलो ?

सोल्जर : एका परस चड लोक आसूंक जाय ! म्हाका दिसता तुजेच कोण तरी आसतले. तुका सोदीत आयल्यात.

सोल्दाद : जावं येता. आमच्या कमांडरान धाडल्या आसतले म्हजे सोदीक !

(अकस्मात टॉर्च लायटीचो प्रखर उजवाड दोगांयचेर पडटा. दोगूय दिपकावतात. आनी त्याचवांगडा 'हॅन्डस् अप' असो कणखर आवाज कानार पडटा. सोल्जर आनी सोल्दाद हात वयर करतात. एक इंडियन कमांडर येवन सोल्दादाच्या हातांतलें पिस्तोल काडटा आनी ताचीं बोल्सां सांसपिता. सोल्जर इतलें म्हणसर ताका सॅल्यूट ठोकता.)

कमांडर : तूं हांगा कितें करता ?

सोल्जर : हांव हाजो कैदी सर ! तो म्हाका आपल्या ठाण्याचेर व्हरतालो.

कमांडर : मागीर हांगा ह्या रानांत रातचे कितें करतात ?

सोल्जर : हांव मुक्तीसेनेच्या बटालीयनातलो. सिमेवयल्यान भितर सरता आसतनां हाणें म्हाका कैदी केलो.

कमांडर : आतां तूं कैदी ना. आमी जिख्ल्यात. आमचें ऑपरेशन जैतिवंत जालां. गोंयचेवेली पोर्तुगेज सत्ता सोंपल्या. गव्हर्नरान शस्त्रां सकयल दवरून आमकां तो सरंडर जाला. कॉमॉन नाऊ. एरेस्ट हींम.

(सोल्जर कडक सॅल्यूट ठोकता. आनी यस सर म्हणून सोल्दादाक ताब्यांत घेता.)

सोल्जर : ही इज अंडर ऍरेस्ट सर !

कमांडर : नाऊ फॉलो मी.

(थाडथाड पावलां मारीत कमांडर मुखार वता. ताज्या फाटल्यान सोल्जर सोल्दादाचे हात बांदून ताका ओडीत व्हरता. सोल्जराक आतां नेट आयला. मात्सो मुखार वच्चून खिणभर उबो रावता. फाटीं वळून सोल्दादाक पळयता.)

सोल्जर : सॉरी आमीग, हांव तुज्या जुआनाक निरोप दिवंक शकना.

(जड पावलांनी मुखार मुखार वचत रावता. सोल्दाद ताज्या फाटल्यान सरपटत रावता.)

●

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
७७५

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

416
DD:Dev
DTL

ज्ञ A
WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: कॅन्सर
एकांकी संग्रह
cancer

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ______________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

...सिद्ध
...ल्लीं पुस्तकां

...र्गशत्रू (नाटक)
...मरते-भार (नाटक)
कला अकादमी पुरस्कार
आण्टीची गादी (नाटक)
...दर्यासुंदरी (बालगितिका)
आयज आमचें राज आयलें (रस्तानाट्य)
गोमांचल ते हिमाचल (भोंवडेखबर)
कला अकादमी पुरस्कार
कॅन्सर (एकांकी संग्रह)

कव्हर चित्रां : डॉ. सुबोध केरकार
अक्षर संकल्पना : श्री. गोविंद नायक
कव्हर छापणावळ : काझा पॅकमास्टर, पणजी